कोंकणी निरंतरी...

# पयणारी

आशावादी प्रकाशनाची डिजिटल कोंकणी साहित्यिक पत्रिका

• अंक: ४ • म्हयनो: सप्टेंबर • वरस: २०२० • मोल: रू.५०

- संपादकीय: कोंकणी आनी डिजिटल फुडार
  - लेखन: डिजिटल माध्यमांनी कोंकणी साहित्यिक सर्त
- स्पर्धो: पयणारी-वीज साहित्यिक सर्त २०१९
  - कथा: साक्षात (मेलवीन जे. वास)
- तर्जण: कामगाराचें दोतोराक भाश्य (बर्टोल्ट ब्रेख्त)
  - कविता: संदिग्ध (मेलवीन जे. वास)
- लेखन: कोंकणी प्रचारांत डिजिटल माध्यम (रोशू बज्पे)
  - कविता: पावस कोणाचो (उर्जिता भोबे)
- कविता: प्रकृती आनी मनीस (माधव बोरकार)
  - लेखन: डिजिटल कोंकणी ऑडिओ बूक (प्रसन्न निड्डोडी)
- लेखन: डिजिटल माध्यमाचेर कोंकणी साहित्य

वल्ली क्वाड्रस
(मुखेल संपादक)

शैलेंद्र मेहता
(सह-संपादक, नागरी)

मा। जेसन पिंटो
(सह-संपादक, रोमी)



वीज कोंकणी

डा।आसटीन प्रभुच्या संपादकपणाखाल चिकागो थावन येंवचें ई-पत्र

## संपादकीय मंडळी



वल्ली क्वाड्रस
(मुखेल संपादक)




शैलेंद्र मेहता
(सह–संपादक, नागरी)



मा। जेसन पिंटो
(सह–संपादक, रोमी)

## सांदे



वायलेट आळव
(मुंबय)



प्रेम मोरास
(मंगळूर)

संपादकीय

# डिजिटल कोंकणिचो फुडार

फ्लॅटाथावन ऑफिसाक वचपी म्हजे सदांचे वाटेर कांय तेंपाथावन व्हड व्हड बांदपां उबीं जावंक लागल्यांत. मायानगरिचें खाशेलपण हेंच; एका तेंपार खारफुटी *(Mangroves)* जावन आशिल्ली सुवात लेगीत मोलादीक जाता. दीस गेल्लेपरिंच पोटाची व्याप्त, दिसपट्टो ग्रास सोदूंक देशाच्या आर्थीक शारांत येंवच्या लोकाचे खेटिंत जियेतेल्या मनशाक उबार सुवातींनी रावंक जाय. आनी हिंच सपनां विकपी बिल्डरांनी आतां मुंबयत म्हेळें उदक वचपी गटारां, चिखल–घाणिची खारफुटी सोडिनासताना तांचेर बांदपां उबीं करपाची येवजण सुरू केल्यार ती मोल दिवन घेवंक लेगीत गिरायकांचो उणाव ना.

हे म्हजे वाटेर उबीं जाल्ल्या आनी उबीं जावपी बांदकामाक लागून ओरिस्सा, आसाम, वा युपी/बिहार थावन आयिल्लो कार्मीक लोक, आपल्या कुटुम्बासवें रस्त्याच्या देगांनी टेंट घालून तांतूंत वसती करून आसतात. जेन्ना हीं बांदपां उबीं जातात, तोमेरेन हीं हांगासर घोळून उपरांत बिल्डर खंय व्हरता थंय वचोन जियेतात. पूण म्हज्या ऑफिसाचे वाटेर हांव म्हजे गाडयेन वता आसताना सदांच रस्त्यावयले बरेच पेटे नेटान भोंकीत म्हजे गाडये फाटल्यान धांवून येतात, जशें ते हेरांच्या गाडये फाटल्यानय धांवतात. पूण हांवें म्हजी गाडी रावयली तर एकय पेटो भोंकींना, हांव गाडयेंतल्यान देंवलो तर चाबुंकय येनात. पूण हांव गाडी रावयनासतना गेलों तर कांय रस्त्यामेरेन हे पेटे भोंकून धांवत रावतात. चड चिंतची गरज ना. हे पेटे रस्त्यावयले, ना ह्या बांदपाचे, ना ह्या बांदपाच्या कामाक आयिल्ल्यांचे.

ऑगस्टाचे वीस तारकेक वर्सावळीप्रमाण कोंकणी मान्यताय दिस मनयलो. त्या निमतान वर्साक एक पावटीं तरी आमच्या वर्तुळाभायर तेळुंक एक आवकास मेळटा तेंच कोंकणिचें भाग्य म्हणू येता. आनी त्या दिसा आमकां आयकुंक मेळपी साबार वीर–रसां मदले थोडे तरी उगडास करचे तर; 'कोंकणी पांच लिपयांनी बरयतात, चार राज्यांनी उलयतात, चाळिसांवयर बोलिंनी उलयतात, तीन धर्मांची एक भास.' आयकुंक बरें लागता, जशें भुरगेपणाच्या लिसांवांनी शिवाजी महाराज, अकबर, अलेक्सांडर, पोरस,

सुभाशचंद्र बोस, सम्राट अशोकच्यो वीर कथा आयकून आयिल्लेपरीं. कोंकणिच्या नांवान उब्यो केल्ल्या संघटनाचे मुखेली असले वीर-रस सांगून वचपाचो एक रिवाज जाला. पूण हीं वीर-रसाचीं गायनां गायतल्या कितल्या जाणांक पांच लिपी खंयच्यो हे खात्रेन कळीत आसा? चाळीस चडुच जाल्यो, कोंकणिंतल्या धा बोलिंचीं नांवां तरी कळीत आसात? हांतूंतल्या कितल्या जाणांक कोंकणिंत एक वाक्य बरवंक वा वाचुंक कळीत आसा? हे व्हडले प्रस्न.

आमची दीश्ट आमच्या तळहाताभायर वचना अशा संदर्भार आमी कोंकणी खातीर कितें चिंतुंक शकतात हो व्हड प्रश्न. वीर रस जातच, सुरू जाता करुणा-रस. हांगासर कोंकणिचे करुणा वा व्यथेविशीं उलवपां; 'आमची कोंकणी भास गिरेस्त भास, पूण लिपीक लागून आमकां एके लिपिंतलें साहित्य अन्येका लिपिंत वाचूंक मेळना' सामकें खरें, पूण हाचेपरस मुखार आमी कितें चिंतुंक शकल्यात? कोंकणी भास भारताच्या संविधानाच्या आटवे वळेरेंत रिगून कांय पंचवीसां वयर वर्सां जालीं. पूण हे दिशेन कोणेंय वावर केला वा करप चालू आसा? पांच लिपी सोडाच, एकेच लिपिंत आमी परकी. 'वाचप,' 'तोखणाय', 'समीक्षा', 'विशलेषणां', 'विमर्सो'- सगळें तोंड पळवन करपाच्या वा करून घेवंच्या दिसांनी कोणाचें वेवस्थित लुकसाण जाता तर तें कोंकणीचेंच.

अन्येक रस (हो नव रसांतलो न्हय) आयचे तरणाटे, आयचीं भुरगीं कोंकणी उलयनांत, कोंकणी वाचिनांत, कोंकणी बरयनांत, कोंकणी आयकनांत, कोंकणी पळेनांत अश्यो कागाळी करपी चडशे म्हालगडेय वेगळी देख दिनात. तांचो कोंकणिचो खतखततो मोग उदेता रिटायर्ड जातना, बऱ्याचजाणांक कोंकणी म्हळ्यार एक 'एक्सट्रा इन्कम', देखुन कोंकणिच्या नांवार धेंकर वा घाण वारें सोडल्यार लेगीत तांकां दुडू जाय. हें इतल्यारच रावना, जे कोण कसलोच दुडू आशेनासतना काम करतात, तांकांय मोल ना, तांच्या कामाक मोल ना हें एके कोडू सत.

हे परिस्थितींत डिजिटल माध्यम एक साधन *(Tool)* जावन कोंकणी भाशेचे उदरगतीपासत पर्यायी वाट दाखयता. हांगासर आमची मानसिकता बदलप गरजेचें. आमचें उलवप आमच्या कामांनी जाल्यार कोंकणीक बरें. आमचो चडसो वेळ आमी हेरांच्या कामांचें उणेंपण मेजुंक वा चुकी सोदूंक खर्चितात, पूण तोच वेळ जर आमी बऱ्या कामाक दिलो तर कोंकणीक बरेंच न्हय? कोंकणी भाशेचे आमी एकेकले प्रतिनिधी. कोंकणी भास ल्हान वा गिरेस्त हें आमचेर पातयेवन आसा. कोंकणी भास फकत गेल्ल्या पंचवीस वर्सांफाटीं उदेवंक ना, संविधानाचे आटवे वळेरेंत रिगच्याआदींय कोंकणी भास आसली. आनी कोंकणी भास, कोंकणी साहित्य, कोंकणी कला, कोंकणी लोकवेद, कोंकणी तियात्र, कोंकणी संगीत, कोंकणी जानपद, कोंकणी रंगमंच आसलो. पूण आयची सादारण कोंकणी परिस्थिती खंय पावल्या? आमी तिचेविशीं कितले गंभीरआसात?

हांगासर दोन मुखेल प्रकारांचो वावर चल्ला व चलता, पयलो: कोंकणिचो खरो मोग आशिल्ले कांय आपल्या घामान जोडिल्लो दुडू मोडून कोंकणी भाशेची पसवण करपी. दुसरो प्रकार; कोणेंय जमयिल्लो वा दिल्लो दुडू मोडून कोंकणीचें काम करपी. पयलो प्रकार स्व-खुशेचो देखून तो व्हडल्या मापान मेजपाचो, दूसऱ्या प्रकारांत केल्ल्या वावराची समीक्षा करपाची चड गरज आसा. हांगासर 'म्यूजिकल चेर' खेळावरी चिंतुन

थोडेच मेळून तांकां जाय जाल्लेपरीं भाशेक घासचें, पुसचें करून आज कोंकणी भाशेची गत इतली लाचार जाल्या. हे परिस्थितींत सरकारी फंड कोंकणी भाशेच्या सगळे वाडावळेक कांय तीन कासांक तरी उपकारता काय हो एक व्हड प्रस्न.

आयज आमी हें डिजिटल माध्यम वापरून कोंकणिचो बरो फुडार बांदचे दिशेन वावर करुंक शकतात. इंग्लिश भास आयज विश्वभर उलयतात पूण अमेरिकेची वा जमैकाची वा भारताची वा लंडनची इंग्लिश एकसारकी ना. ही भाशेची गिरेस्तकाय वा वैविध्यता पाचारूं येता. आतां हिंदी भास आमची राश्ट्र भास, पूण उत्तरेची हिंदी आनी दक्षिणेची हिंदी एकसारकी ना. संसारातले खंयचेच भाशेचेर हेर प्रांतीय भाशेचो प्रभाव पडनासतना रावंक शकना. देखून कोंकणीचेर हेर प्रांतीय भासांचो प्रभाव पडला हातूंत नवल ना. कर्नाटकांत कन्नड आनी तुळू भाशेचो प्रभाव पडला तर गोंयांत पुर्तुगेज आनी मराठिचो प्रभाव पडला हें आतांचें साहित्य वाचताना समजता. हें भाशेचें पोल्युशन नितळ करप ही एक गरज अशें कांय वर्साथावन आयकून/वाचून/समजून आयल्यात. आयज नागरी लिपिंत प्रमाणिकरण आसा, रोमी लिपिंत प्रमाणिकरण आसा, कन्नड लिपिंत प्रमाणिकरण आसा, पूण 'आसा'म्हळ्यार फकत 'बुकारुपान' मात. कारण एखाद्री भास घोळटा नेमाळ्यांनी वा बुकांनी. आनी आमच्या नेमाळ्यांनी हें प्रमाणिकरण कितल्याश्या मापान जालां वा जाता? कांय तेंपा आदीं 'राकणो' नेमाळ्याचेर ही बरपावळ बदलपाचें साहस सुरू केल्लें. भाशा तज्ज्ञ दोतोर विली द सिल्व्हा हांच्या मुखेलपणाखाल, शाम बोळीयेच्या संपादकपणाखाल सुरू जाल्ल्या ह्या साहसाक लोकांचो पाटिंबो लाबलोच ना. वर्सांचींवर्सां म्हेनत करून तयार केल्लो 'बायबल' लोकांनी स्विकारलोच ना. हाचे फाटलीं नीज कारणां कसलिंय आसुंदी पूण हांगासर विशय हो: प्रमाणिकरण ही समस्या आयची–कालची न्हय, ती समस्या तशीच आसतली.

कोंकणिंतलें प्रिंट माध्यम सद्या वेंटिलेशनाच्या आदारान जियेता. कितलो तेंप तें वेळाचे अधीन आसा. एके वटेन चडत रावपी प्रिंटिंगाचो खर्च, टपालखर्च, हांका लागून पारंपरीक वाचपी उणे जावन दुसरे वटेन डिजिटल माध्यमांकडेन चडीत लोकांची पसंती, तारणाव्यांची आसक्ती आनी उमेद, डिजिटल माध्यमांत कोंकणीक बरो फुडार उक्तो करचे दिशेन एक बरो विकल्प म्हणून हांव मानीत आयलां. आमी सांचील्लें उदक जायनासताना व्हांवतें उदक जावंक जाय. आमी मुखार वचूंक जाय, कोंकणीक मुखार व्हरूंक जाय. हऱ्येका शेतांत आमचीं पिकां मुखार काडूंक जाय. आमी सगळ्यांनी एक पावल मुखार घालें तर आमची कोंकणी कीतलेच मैल मुखार वचुंक शकतली. आमचें उलवप आमच्या कामांनी जावंक जाय. तेभायर रस्त्यावयल्या पेव्यांवरीं फकत वर्साक एक फावट भोंकून कोंकणी मुखार पावना.

ही डिजिटल कोंकणी साहित्यिक पत्रिका (जर्नल) आतां तुमचे हातांत आसा. फुडें हाचेपरसूय बऱ्यो कोंकणी साहित्यिक पत्रिका येंवदी हेच म्हजे नमाळायेचे आंवडे.

**वल्ली क्वाड्रस**
मुखेल संपादक
WhatsApp: 7021967880

२०१७ इस्वेथावन डिजिटल आनी प्रिंट रुपार वर्साक एक पावटीं पर्गटून येंवचें पयणारी ह्या अंक्या थावन डिजिटल रुपार पर्गटून येतलें.

# डिजिटल माध्यमांनी कोंकणी साहित्यिक सर्त

लेखन

मनश्याचें जिवीत सर्तीं खातीर न्हय, पूण हरेकल्यान जिविताचो प्रवास करुंक जाय आनी तो प्रवास उल्लासीत, उत्तेजीत जांवन आपूण हेरांच्या उगडासांत उरूंक जाय तर, सर्ती आसुंक जाय. असल्या सर्तींनी हांवें म्हाकाच हरोवंक जाय. प्रख्यात गायिका सेलीन डियोन *(Celine Dion)* म्हंटा *'I am not in competition with anybody but myself. My goal is to beat my last performance'* ह्याच कारणाक लागून सेलीन डियोन *(Celine Dion)* हिची संगीत कळाशी, तिणें गायिल्ली पदां साबार लोकाच्या उगडासांत असात.

पयणारी–वीज हाणीं मांडून हाडिल्ल्या २०१९ वर्साच्या सर्गेस्त विल्पी रेबिंबस स्मारक राश्ट्रीय पावंड्यावयले साहित्यीक सर्तींतल्या बरपाचेर नदर घालून बरयिल्ल्या लेखांत बाब जेसन पिंटो अशें बरयता "साहित्यांत जायते प्रकार आसात, फकत हेंच 'साहित्यीक बरप' अनी हें 'अ–साहित्यीक बरप' म्हणुंक आमच्यान जायना, हरेकलो बरवपी समाजांत सुदारण हाडुंक बरयता, कोण मनोरंजनाखातीर बरयता, कोण एकलो म्हायती प्रसार करुंक बरयता, तिसरो उतरांनी खेळुन भाशेची गिरेस्तकाय लोकांमदीं शिंपडायता.. आदी. साहित्यावरवीं समाजाचेर आनी खरेपणान आमच्या चिंतपाचेर व्हड प्रभाव पडुंक शकता." हरेका साहित्याचो मूळ उद्देश सोंप्या उतरांनी उगडासाक हाडपी हीं उतरां खात्रेन उक्तेपणान चिंतपाक संद दितात.

एका मनशान, ताचें चिंतप साहित्याच्या खंयच्याय एका प्रकारावरवीं समाजामुखार दवरुं येता, जांव ती काणी, कविता, कादंबरी, लेखन, नाटक, सिनेमा.. आदी, पूण हांगासर सवाल... अशें बरयिल्लें कोण प्रसारीत / पर्गटीत क ]रता? हरेका पत्राक तांचीं स्वताचीं मळ्ळीं ध्येयां आसात, आनी हीं पत्रां तांच्या ध्येयानुसार विशय प्रसार करतात, वा बरवपी एक लोकामोगाळ लेखक *(Established Writer)* हें संपादकाक कळीत आसल्यार, त्या बरवप्याचें साहित्य पर्गटीत करतात. असले संदिग्ध परिस्थितींत, नव्यो उदेवपी साहित्यिक सर्ती अपल्या परिसरांत हेरांनी देखूंक नाशिल्लें पळोवंक, आवाज नासतना अयकल्लें नेटान सांगुंक अवकास मेळवन दितात, सागांतान संपादकांचे वळेरेंत नवें साहित्य, वाचप्यांखातीर नवो बरवपी जल्म घेता, हांगासर मुखेलपणान समाजाचें बरेपण आशेवन, आपलो समाज आनी मनश्यांखातीर आवाज करुंक एक नवो सांदो उदेता. 'साहित्यिक सर्तींक' खंयचेय नदरेन पळयल्यार ही एक बरें साहित्य वेंचून काडपाची प्रक्रिया जावन आसा, तें एका विषयाचेर विवीध थरांच्या चिंतपाचें एक सम्मेळन आसता. *Competition on anything is good, because it makes everybody better* अशें अ?डी क्यू म्हंटा *(Eddy* कर, *Apple Senior Vice President)*. कोंकणी साहित्यांत असल्यो 'साहित्यिक सर्ती ' साबार वर्सांथावन चलत आयल्यात; प्रिंट मीडिया आपल्या पत्राचेर पर्गटून येवपी साहित्यिक पावंड्याक सुदरावंक, तशेंच पत्राचो प्रचार वाडवंक असल्यो सर्ती घडवन साहित्यिक प्रतिभा आशिल्ल्यांक एक वकास दिता. असलेच प्रयोग करून डिजिटल माध्यमां साबार साहित्यिक सर्तींवरवीं साबार नव्या साहित्याक अवकास दिता हें प्रशंसनीय जावनआसा, अशें ह्या पत्रांनी साहित्यिक सर्तींवरीं रोयिल्लें बीं आयज साबार नामनेच्या साहित्याच्या रुपान कोंकणी साहित्यांत फळादीक जालां.

डिजिटल माध्यमाक लांब काळाचो इतिहास ना. २००० वर्सां उपरांत कोंकणी साहित्यिक वेबसाईट्स उदेल्यो. तेन्नाथावन आज पासत वेबसायटींनी मांडून हाडिल्ल्या वेगवेगळ्या साहित्य सर्तींची मोख वर्गणी वाडवपाची

खात्रेन न्हय, कारण वेबसायट हो एक उक्तो जागो, जो कोणेंय फुकट वाचुं येता. ते दिशेन असल्यो साहित्यिक सर्ती घडवन हाडचेफाटल्यान आशिल्लो उद्देश फकत कोंकणी साहित्याचो पांवंडो सुदारप होच, हें परत सांगची गरज ना.

वर्सुकी साहित्यिक सर्ती :

नव्या गुणांक अवकास जाय आनी कोंकणींत साहित्याचो पांवंडो आनीक ऊंच वचूंक जाय' असो इरादो मनांत दवरून २००४ वर्सा कुवेटांत काम करपी वल्ली क्वाड्रसाच्या *www.daaiz.com* हे वेबसायटीन कोंकणींतले (कन्नड लिपिंत) पयले साहित्यिक सर्तीची सुरवात केली. लघूकथा, लेखन आनी कविता अशा तीन प्रकारांत येवजिल्ले हे सर्तींत आकर्शक इनामां नगदी रुपान दिल्लीं, सुमार १६ वर्सांआदीं (२००४), सर्तीच्या एकेका प्रकारांत पयलें, दुसरें आनी तिसरें इनाम म्हूण ५०००, ३०००, २००० रुपया इनाम त्या काळार व्हड जावन आशिल्लें. कोंकणींतले नामनेचे कवी, कथाकार हांचीं ह्या साहित्यिक सर्तींनी इनामां जोडल्लीं बरपां वेबसायटीर तशेंच 'दिवो' नेमाळ्यांत पर्गटलीं.

२००५ वर्सा परत ही सर्त मुखार व्हेली, पूण २००६ आनी २००७ वर्सा 'मित्र' पत्रासांगताक दायजा–मित्र नांवान ही साहित्यिक सर्त फुडें चलून साहित्यिक प्रतिभा आशिल्ल्या साबार कथाकार, कवी, लेखकांच्या बरपांक इनामां लाबलीं. इनामां जोडपी कथाकारांमदीं; साहित्य अकाडेमी पुरस्कार जोडपी जे. बी. मोरायस, डा. एडवर्ड नज्रेत, कॅथरीन रॉड्रिगस, केवीन डी'मेलो कार्कळ, एच्चेम पेर्नाल, एल्येर ताकोडे, म. बा. मेलवीन पिंटो नीरुडे, स्टीफन क्वाड्रस पेर्मुदे, मा।जो. सी. सिद्दकट्टे, आंटनी बार्कूर अशीं साबार नांवां आसात.

म्हयनाळ्यो साहित्यिक सर्ती

२००६ वर्सा *daiz.com* हाणीं 'तिंतेरांत पिंतुरां' नांवाची म्हयनाळी कविता सर्त सुरू केली. एक पिंतूर दिवून त्या पिंतुराचेर प्रेरीत जावन कविता बरवपाची सर्त. बारा मयन्यांनी बारा पिंतुरां दिल्ले हे सर्तींत २१० कविता पर्गटल्यो. एच्चेम, अनील पेर्नाल, म्याक्सीम लोबो, विल्सन कटील, मेलवीन पेर्नाल, प्रसन्न निड्डोडी, विल्फ्रेड लोबो पडील, विन्सी पिंटो आंजेलोर, अविना मियार, नंदिनी (स्टेल्ला डी'कोसता), रओबर्ट फेर्नांडीस उद्यावर, आर्थर पिरेरा ओमजूर. आनी 'वर्साचो कवी' इनाम जोडपी एच्चेम पेर्नालाक पंचवीस हजार रुपया (पंद्रा हजार थावन तशेंच धा हजार इनाम ऑस्टिन प्रभु हांचेकडल्यान) मेळ्ळे.

२००७ हे सर्तींत पिंतुरा बदलेक एक विशय दिवून त्या विशयाचेर कविता बरवपाची सर्त 'उत्रांत सूत्रां' सुरु केली. लियाब (काव्यादास), मा. मेलवीन पिंटो नीरुडे, एड्डी सिकेर, जेरी डी'मेल्लो बेंदूर, 'आंटनी बार्कूर, 'क्लेरेन्स कैकंब, 'मेलवीन जे. वास केलराय मा. जोर्ज ओलिवेरा, फ्रान्सीस फुर्तादो, विन्सी मेल्कार, आऱ्यन ताकोडे तशेंच वायलेट पिरेरा हीं बारा म्ह=यन्याचीं इनामां मेळयल्लीं तर; बारा म्हयन्यांच्या कवि वांगडा म्हयन्याचो कवी इनाम 'आंटनी बार्कूर' तशेंच दोगां हेर कविंक; 'विल्सन कटील, आनी 'मा. मेलवीन पिंटो नीरुडे'हांकां दुसरें आनी तिसरें इनाम लाबलें.

दायज वर्साचो कथाकार – २००५: स्टेन अगेराक दायज २००५ वर्साचें काण्येगार इनाम लाबलें.

दायज वर्साचो कथाकार – २००६: क्लेरेन्स कैकंब मसकत हाका दायज २००६ वर्साचें काण्येगार इनाम लाबलें

दायज २००६ वर्साचो कवी: एच्चेम पेर्नाल हाका दायज २००६ वर्साचें कवी इनाम लाबलें.

दायज २००७ वर्साचो कवी : आंटनी बार्कूर हाका दायज २००७ वर्साचें कवी इनाम लाबलें.

२०१७ वर्सा मुंबयथावन वल्ली क्वाड्रसाच्या *poinnari.com* कडल्यान पयली राश्ट्रीय थरावयली, तीन लिपियांची 'पयणारी साहित्यिक सर्त २०१७ वर्सा सुरू केली. लघु कथा, कविता, लेखन ह्या तीन विश्यांचेर ही सर्त स्पर्धो जाली. गोंय, महाराश्ट्र, कर्नाटक तशेंच केरळ थावन साबार साहित्यिक प्रतिभावंतांनी हे सर्तींनी इनामां आपणायलीं.

२०१८ वर्सा पयणारी– वीज हांच्या जोडपालवान दोन लिपयांनी (कन्नड आनी नागरी), सुरवात केल्ले हे सर्तींत, अनुवादीत लघु कथा, स्वता बरयल्ल्यो लघुकथा, लेख अनी कविता अशे चार विभाग आसले.


२०१९ वर्सा ही सर्त दोन लिपयांनी जाली

२०२० वर्सा ही सर्त तीन लिपयांनी करपाची थारायल्या. कन्नड, नागरी आनी रोमी अशा तीन लिपयांनी आशिल्ले हे राश्ट्रीय पावंड्यावयले साहित्यिक सर्तीवरवीं साहित्यिक प्रतिभेक नवो आवकास लाबवचो मुखेल इरादो आसा. बारकायेन पळयल्यार, असल्यो सर्ती घडवन हाडुंक खूब मेहनत असा, सर्तीचो प्रसार, परीक्षकांची वेंचणी सर्त, एके लिपयेपरस चड लिपयांनी असल्यार एके लिपिंत बरयल्लें हेर लिपिंतल्या परीक्षकाक लिपिंयंतर करप गरजेचें. ह्या सर्तींचे परीक्षक कोंकणींतले नामनेचे साहित्यि। ताणीं हें मेहनतीचें काम कसलीच अपेक्षा नसताना करप ही तोखणाय करपा सारकी गजाल .


नव्या विचारांच्या ह्या २१ व्या शतमानांत सगळेंच वेगान घडटा, डिजिटल माध्यमाचो इतिहास मटवो पूण फुडार व्हड आसा. प्रिंट माध्यमाक लांब फुडार ना अशें म्हणप फट जांवचेंना. एके वटेन वाडत वचपी प्रिंटाचो खर्च, पेपरांचो खर्च, पोस्टिंग आनी मुखेल म्हळ्यार उणी जायत वचपी वाचप्यांची संख्या तर दुसरेवटेन तरणाटे तांत्रिकतेक भुल्लूसुन डिजिटल माध्यमांवरवीं नवीं पावलां मारतात आणि डिजिटल माध्यमांनी दिसांदिस वाडत वचपी कोंकणी साहित्य उजवाडावपी वेगवेगळ्यो वेबसाईट्स हाची गवाय दितात. अखेरीक इतलेंच, कोंकणीक बरो फुडार येंव, डिजिटल माध्यम कोंकणीक नवें त्राण दिंव अशी आस बाळगूया .



– लॉरेन्स वी. बार्बोझ, मँचेस्टर



दसेंबर २० तारिकेर डिजिटल माध्यमाचेर मोकळीक जातलो
मोनिका डे’सा मथायस (डबलीन) हिचो पयलो कोंकणी कथाजमो



## पयणारी.कोम आनी वीज ई–पत्रान २०१९ इस्वेंत मांडून हाडल्ल्या दिविलफी रेबिंबस स्मारक दोन लिपिच्या राश्ट्रीय मट्टाच्या कोंकणी साहितीक सर्तेंत जिकून आयिल्ल्यांचीं नांवां

**मटवी काणी:**
पयलें इनाम: **साक्षात** (मेलवीन जे. वास केलराय, मंगळूर)
दुसरें इनाम: **मांड** (रमेश गडी, गोंय)
तिस्रें इनाम: **वाखोर** (उर्जिता भोबे, गोंय)

**प्रोत्साह/हुमेदिचीं इनामां:**
१. **मरण** (रोशू बज्पे, मंगळूर)
२. **सांडिनातलीं जाळां** (सिरील विलियम वास लोरेट्टो, मंगळूर)

**कविता:**
पयलें इनाम: **पावस कोणाचो** (उर्जिता भोबे, गोंय)
दुसरें इनाम: **रद्द केलां** (कविता पर्गट जाल्ल्यान)
तिसरें इनाम: **संदिगद** (मेलवीन जे. वास केलराय, मंगळूर)

**प्रोत्साह/हुमेदिचीं इनामां:**
१. **मोनो कळो** (सुनेत्रा जोग, गोंय)
२. **ब्राह्मणत्व** (शांतनुअय्य, गोंय)

**लेकन:** रोशू बज्पे

**तर्जण काणी:** रोशू बज्पे, उमेश सर्देसाय, सुनेत्रा जोग, प्रेम मोरस

२०१९ इस्वेच्या नवेंबर २४ तारिकेर मंगळुरांतल्या सांआग्नेस कोलेजिंत चलल्ल्या **'एक कोंकणी सांज'** कार्यावेळार इनामां वांटलीं.

**स्पर्ध्याचे वोरयणार:** : प्राथमीक वोरयणार : माजेसन पींत उद्यावर
दो। स्यामवेल सिकवेरा, शरतचंद्र शेणय कोच्ची, विन्सी क्वाड्रोस गोंय, वल्ली क्वाड्रोस.



पयणारी–वीज हाणीं २०१९ इस्वेंत मांडून हाडल्ल्या देविलफी रेबिंबस स्मारक राश्ट्रीय मट्टाच्या कोंकणी साहितीक स्पर्ध्यांत पयलें इनाम मेळल्ली काता.

# साक्षात!

इनामीत कथा

"शम्मी... अप्पा अंतरलो!" आयच्या फांत्यार अजून न्हिदेच्या अंमलार आशिल्ल्या म्हाका थांबनासताना वाजपी फोन उखलतना अण्णाचीं उतरां कानार पडलीं. म्हाका कांय धक्को बसलोना. "हूं!" हावें इतलेंच सांगल्लें. "शम्मी... तूं येतेलें न्हय!" दुबावान उलयल्यावरी अण्णान विचारलें.

फकत म्हजो, म्हाका जल्म दिल्लो अप्पा मेलो म्हूण हांव परत त्याच, हांव सोडून आयिल्ल्या म्हज्या गांवात पांय दवरूं? एका पैश्याच्या उपकाराक पडनाशिल्ल्या.... मेल्ल्या अप्पाच्या मड्याक पळंवचेखातीर.... हांव.... म्हज्या हावें सोडिल्ल्या...., हांव सासणाक पळवंक आशेनाशिल्ल्या गांवात..... परत पांय दवरूं?

" गांवाविशीं तुजें मन इतलें मोडलां?" म्हज्या घोवान, श्रीधरान म्हाका सबार फावटीं विचारिल्लें. हावें जाप दिल्ली ना.

म्हज्या लग्नाक येत्या म्हयन्यांत अठरा वर्सां जातात तरी ह्या मुंबय शाराच्या जिविताकडेन श्रीधराइतली म्हजी संवकळ जाल्ली ना. श्रीधर चडश्या भुरगेपणाथावन ह्या समाजांत भरसला. पूण हांव? म्हाका तें अजून साध्य जावंक नाशिल्लें. भुरगेपणार पाळिल्ले आचार विचार म्हाका सोडून वचूंकतयार नाशिल्ले.

"कितें करूं शम्मी. पांय भायर दवरल्यार हांगा हजार जातीआनी कातिचो लोक. नियंत्रण नाशिल्ली जिविता धांव. पावला पावलार आशिल्ली अर्थीक सर्त. देंवत वचपी मनश्याचें मोल! ह्या सगळ्या मदीं आमचे जाती – कातीचे आचार विचार....? ते फकत गांवच्या जिविताकडेन संबंद राखूंक शकतात. त्या आचार विचारांक मुंबयचे हे मातयेर पाळूंक गेलों जाल्यार...." म्हज्या घुस्पागोंदळांत श्रीधर सत सांगतालो .

"हें शार शम्मी! हांगा तुवें कॉम्प्रोमाईज करचें पडटलें!" श्रीधर म्हंटालो.

"हूं!" हांव म्हंटालेंआनी मौन जातालें.

मुंबय शाराकडेन म्हज्या दळडिऱ्या गांवच्या जिविताची सर करूं येता?

मुंबय शाराची आनी म्हज्या नीर्नळ्ळी गांवच्या जिविताची सर करुंक जाता? हांव तरी शुद्ध गांवच्या जिविताक आशेल्लीं.

म्हज्या नीर्नळ्ळी गांवच्या पोस्ट ऑफीसांत अप्पा पोस्ट मास्टर. ताचे आदीं तो फकत पूजापाठ करपी गांवचो भट! अचानक ताचे मतिंत कितें आयलें कोण जाणां. ताणें पूजा पाठाचें काम रावयलें आनी सरकारी कामाखातीर पोस्ट ऑफीसांत रिगलो.

घरालागीं पूर्वजांचे आसपतिचो वांटो म्हूण धा एकर् शेत आनी बारा एकर् रान. शेतांत मुंडकार कसताले. गोठ्यांत दुदाचीं गोरवां, जोताचे रेडे!

अप्पाक हांव आनी म्हजो व्हडलो भाव, आमीं दोगांच भुरगीं. तांतुंय म्हजो भाव आनी म्हजेमदीं णव वर्सांचें लांब अंतर! अण्णाच्या फाटल्यान म्हज्या अम्माक गर्भ रावनाशिल्लो खंय. साबार वैजांचें वखद केल्या उपरांत उजिरेच्या वैजान दिल्ल्या वखदाउपरांत अम्माक हांव जल्मालीं. म्हज्या उपरांत अम्माक भुरगीं जल्मलीनांत.

म्हजे आनी अण्णाचे पिरायेच्या अंतरान आमच्यामदल्या संबंदानीय तेंच अंतर दवरलें.

म्हाका आदलो असो चड कांय उगडास ना. म्हजो आजो गांवचो मुखेल जावन आशिल्ल्यावेळार ताणेंच सरकराचे फाटीक लागून बांदिल्ल्या सरकारी ईस्कॉलांत हांव दाखल जाल्लें. गांवच्या मुखेल्याची नात आनी आमचो हेडमास्टर म्हज्या अप्पाक चड लागीं आशिल्ल्यान ईस्कॉलांत म्हाका चड प्राधान्य मेळटालें

त्या वर्सा हांव चवथ्या क्लासिंत शिकतालीं .

"ह्या वर्सा आमच्या ईस्कॉलाच्या वर्सुकी कार्यावळीक मंगळुरच्या डी.सी.क आपवया." मुखेल मेस्त्रीन अप्पालागीं नवोच प्रस्ताव दवरलो.

"डी.सी.? आमच्या ईस्कॉलांत डी. सी. येतलो?" अप्पा आजापान उलयलो.

"येतलो! कित्याक येवंचोना? माचयेर चडवन फुलां घाल्यार कोणय येता! पूण म्हजो विचार असो न्हय!"

"म्हळ्यार?"

"प्रगती!"

"प्रगती....?"

"हय! आमच्या गांवची प्रगती जावंक जाय! गांवची प्रगती जावंक जाय जाल्यार आमी जागे जावंक जाय. नीर्नळ्ळी नांवांचो एक गांव ह्या देशांत आसा हें आमीं ह्या गांवच्याभायर दाखवंक जाय.

त्या खातीर आमी मुखार सरूंक जाय. फारटीं रावन कांय जायना. सुत्तुरांतले गांव खंय थावन खंय पावले....!" मेस्त्रीचें भाशण म्हज्या अप्पाक आदेशाभशेन लागलें.

म्हज्या गांवान प्रगतिच्या नांवाफाटल्यान धांवक आरंभ केल्लो हांगा थावनच!

"गांवच्या ईस्कॉलाचे कार्यावळीक ह्या वर्सा डी.सी. येता! वर्सानवर्सां सदांचो मानाचो सोयरो जावन आशिल्लो अप्पा ह्या वर्सा मंगळुरच्या डी.सी. बराबर माचयेर बसूंक पावतलो!" अप्पा हें आयकोन खूश जालो. "पूण बोणको....?" पंचायत अध्यक्ष बोणको अप्पाक नाका आशिल्लो. पूण बोणको पंचायत अध्यक्ष देखून अप्पाक दुसरी वाट नाशिल्ली.

ईस्कॉलाचे वर्सुकी कार्यावळीचे तयारेक आरंभ जालो. "कार्यमात तुजे धुवेथावनच आरंभ जातलें!" मुखेल मेस्त्रीन सांगतकच अप्पा फुल्लो.

"तें कशें?"

"भरत नाव्यान कार्यावळीचो आरंभ करून थोडें नवेंपण हाडया. आमच्या गावांत टॅलेंट आसा हें

संसाराक कळीत कऱ्या !"

"आमचें शम्मी भरत नाव्य करतलें ?"

"ताची तजवीज हांव करतां !"

थोड्या दिसांनी मंगळूर थावन एकली बायल आमच्या गांवात देंवली. तिचेमुखार मुखेल मेस्त्रीन म्हाका उबें केलें.

म्हाका भरत नाव्य करूंक कश्टपडले. हात पांय घुंवना जाले. हांव रडलीं. ती बायल खूश जालीना. तिणें म्हाका सोडलें आनी दूसऱ्याक घेवंक सुचवणी दिली. उपाय नाशिल्ल्यान अभ्यासाक सगळ्यांक आपयलें. हांतूंत गीता वेंचून आयलें.

गीता आमच्या मुंडकाराचें चेडूं. ताचें कुटुंब आदीं थावन आमचीं शेतां भाटां कसत आयल्यांत. आतां ताचो बापय आमचा शेतांनी कसुंक येतालो. ताची आवय आमचीं गोरवां पोसताली.

"मुंडकाराचें चेडूं....!" अप्पा खूश जालोना. मेस्त्रीन वेगळेंच केलें. "भरत नाटयांत मदीं सरस्वती देवीक उबी कऱ्या!" ताणें सांगलें. म्हाका सरस्वती देवीचें पात्र दिलें. अप्पा खूश जालो. हांगाथावन गीता वांगडा म्हजी संवकळ जाली.

हे संवकळीक अम्मान वाडूंक दिलीना. जाती-कातीक मुखार हाडलें. आचार-विचाराचे शेर्मांव दिले. ऊंच-नीचाची बुद्द पाळुंक सांगली. मांसा- नुस्त्यामुखार वोंकारें काडुंक शिकयलें.

ईस्कॉलाच्या वर्सुकी कार्यावळीवेळार रंग माचयेर डी.सी. न दिल्ल्या प्रगतेच्या शेर्मांवाचें रूय आपल्याक घेवपाची संद गांवच्या बोणक्यान सोडलीना. गांवचे पंचायतीचो तो अध्यक्ष जावन लेगीत ईस्कॉलाच्या विशयांत म्हज्या आज्याक लागुन आज्या उपरांत म्हज्या अप्पाकुच चड मान मेळटालो पूण बोणको आड आयलो. फुडलें फावट ताका तालूका थराची तिकेट मेळटली ह्या दुबावान अप्पा ताचे आड उलवंक भिंयेलो.

हांतूंतल्यान म्हज्या गांवचे प्रगतिचो आंकूर मोडलो.

सातवी जातकच अप्पान म्हाका कुडलच्या किरिसतांवाचा ईस्कॉलांत धाडलें. "तांचें इंगलेज बरें! आनी ह्या उपरांत इंगलेज शिकना जाल्यार कांय फायदो ना.!" अप्पान अम्माक भाशण दिलें.

गीता घराच उरलें. ईस्कॉलाक यो म्हूण हावें ताका सांगलें. "किरिसतांवाच्या ईस्कॉलांत फीस चड! अप्पालागीं पयशे नात! बसीन वचचें पडटा! जेवण व्हरचें पडटा! आशें पूरा म्हणालें. अम्माची भलायकी बरी ना म्हणालें.

म्हज्या अप्पा अम्मालागीं गीताची गजाल काडली. "हिच समाजाची रीत!" ताणीं म्हळें.

"गीता ईस्कॉकोलांत गेलें तर फाल्यां तुज्या शेतां भाटांत कसुंक कोण मेळटलें? म्हालगड्यांचीं...... आमच्या पूर्वजांनी भांगर पिकयिल्ल्या ह्या शेतांक उसु उडवंक जाता? आमचा पोटाची गत कितें? तुका समजूचेना तें!" अप्पा रागार जालो. म्हजेमुखार दुसरी वाट ना जाली.

बोणको ग्राम पंचायती थावन तालूका पंचायतीमेरेन उडलो. आनी जिखलो. ह्याच वर्सा आमच्या नीर्नळ्ळीक एक किरिसतांवाचो पाद्री आयलो. ताणें ईस्कॉल बांदपाचें काम आरंभ केलें. 'ह्या उपरांत ह्या गांवच्या भुरग्यांक ईस्कॉल शिकचे खातीर कुडलक वचपाची गरज ना. आनी दुबळीं भुरगीं दुबळीं उरू नज. ताणीं शिकून मुखार येवंक जाय!' ताणें म्हळें. बोणक्यान ताका आपलो सहकार दिलो.

म्हजी धावी जातना गांवांतलें किरिसतांवांचे ईस्कॉल आरंभ जालें. "गांवांत ईस्कॉलआरंभ जालांगो गीता! तूं ईस्कॉलाक वच!" म्हळें. "जायनां!" ताणें म्हळें. "म्हजी पिराय जाली आनी म्हजी आतां घरांत गरज आसा ! तुजे पिरायेर शिकलेलीं जाल्यार बऱ्याक पडपाचें !" तें चुरचूरलें. "कसलें तरी बरें काम मेळपाचें. घराक आदार जावपाचो. अप्पा लाचार जाला आनी अम्मान मांद्री धरल्या!" ताणें म्हळें आनी तें रडलें. हावें ताका थाथारायलें .

अप्पा ग्राम पंचायत एलिसांवाक उबो रावलो आनी पडलो. बोणक्याचे पार्टेचो वेंचूनआयलो.

थोड्या वर्सां उपरांत अचानक अप्पाक तिकेट दिल्ले पार्टेन देशभर जाती–कातिचें अभियान चलयलें आनी फुडल्या एलिसांवाची नेटान तयारी करून जिखुन आयली. बोणक्याआड एलिसांवाक राविल्लो अप्पा बोणक्याक हरोवन जिखुन आयलो.

"इतलो तेंप जावंक नाशिल्ली प्रगती ह्या उपरांत हांव करून दाखयतां!" अप्पान पंचायती मुखावेल्या पिपळां कट्यार उबो रावन भाशण दिलें. "आमच्या गांवाक रस्तो करतां! अप्पान सांगलें. रस्तो नासल्यार प्रगती जायना! गांवागांवांची प्रगती जाय जाल्यार रस्तो गरजेचो! अप्पा कोणा कोणाक घेवन आयलो. घरच्या आंगणांत पंचायत जाली. रस्त्याची रूपरेखा काडली.

"रस्तो म्हजे सुवातेक लागुनच वचूंक जाय!" अप्पान हट धरलो.

"मुडकरांचीं घरां मोडचीं पडटलीं!"

"सरकारालागीं उलवन हांव तांकां दुस्री तजवीज करतां! सरकार आमचो!" अप्पान हड्डे बडवन सांगलें.

थोड्या दिसांनी अचानक गीता म्हाका वाटेर मेळ्ळें.

"धनी.... (तें म्हज्या अप्पाक धनी म्हंटालें) आमच्या गांवांत रस्तो करता खंय!" तें उलयलें .

"हय !" हांवें सांगलें.

"ह्या गांवकारांक कांयच तकली ना!" ताणें म्हळें. "आमकां रस्त्याची कितें गरज आतां? तशेंय रस्तो करुंक जाय तर ह्या भांगार पिकवपी शेतां भाटांतल्यानच कित्याक? इतल्या अपुर्बायेच्या ह्या शेतांभाटांक पुसून हांगा रस्तो करतले. उदकाचीं तळीं पुरतले. सृश्टेचेर बलात्कार करतले. पयशेवाले हेवटेन घुंवतले. सुवाती मोलायतेले. बेब्दे पाडे तांचा म्हालगड्यांनी सांबाळून दवरलेल्या सुवातींक विकून मजेन दीस काडटले. भुंयेत कॉंक्रिट पडतटलें. घरां जातलीं. हांगा बिजनेस चलतले. शेतां भाटां बंद जातलीं. कारखाने उदेतले. धुंवर जातलो. टॅक्स वाडटले. गरीबांक दीस काडुंक कश्ट जातले. सगळो सत्यानास जातलो! धनयान अशें जावंक दिंवचें सारकें?" एकाच दमान ताणें म्हळें .

गीताचे तकलेंत हें खंय थावन आयलें तें म्हाका समजलेंना. अवचित्त जाल्ल्यान ताका कितें जवाब दिंवचो तें म्हाका कळ्ळें ना. हांव वोगीं जालीं.

"आनी जाणां?" तेंच उलयलें. "हे वाटेर मोटरां धांवतलीं. अपरिचीत भोंवतले. अपराध वाडटलो. मनीस चलून वचचेनात. तेल जळटलें. धुंवर उडटलो. भाजी जांवचीना. कीड पडटली. सगळें उसु पडटलें. पावस सारको येंवचोना. भुंयेक पळयतना शिराप ती पडल्याबरी दिसतली. मनश्याक पीडा बुड्डून खातली. शंबर वर्सां जियेल्ल्या आमच्या आवय बापायची पिराय म्हज्या तुज्या वांट्याक पकत्त पन्नास जातली!" ताणें म्हळें.

म्हजी तकली घुंवूंक लागली.

"धनयाक मात्सो समजय! तुजो तो अप्पा देखून तुजें तो आयकतलो!" ताणें म्हळें .

आतां म्हाका थोडी थिरायआयली. आनी हांव म्हज्या अप्पाचे वतीन उलयलीं. "आमच्या गांवचो उद्धार जजावंक जाय देखून म्हज्या अप्पान आमच्या गावांत रस्तो करपाची येवजण फुडें दवरल्या! ही येवजण फकत आमच्या गांवांक मात न्हय! आमच्या देसांतल्या समेस्त गांवांक एक सारको रस्तो आसूंक जाय अशी आतांच्या सरकारची आशा! देखुन....."

"हांतूंतल्यान गांवचो उद्धार जायना!" गीता उलयलें. "गरिबांचो सत्यानास जाता! गांवागांवा भितर गिरेस्त आनी तांच्या दलालांक रिगुंक एक वाट जाता." ताणें म्हळें .

म्हाका आतां गीताचेर दुबाव मारलो. "तुका हें सगळें कोणें सांगलें.?" हावें विचारलें.

"शंकरण्णाच्या पुतान, रवीन!" गीतान सांगलें .

म्हाका आतां राग आयलो. "ताका कितें खबर आसा देखून तो शें उलयता? तो नालायक तुका खंय मेळ्ळो? पयर पिपळांच्या रुखा मुळांत मवाल्यां वांगडा आशिल्लो! तो विडी ओडटा! ताच्यो संवयो सारक्यो नात! ताका कितें खबर.... रस्तो मनश्याच्या जिविताक कितलो उपकाराक पडता तें. ताचो इरादो सारको नासतलो. तूं हावें सांगलेलें आयक गो. ह्या उपरांत तूं ताचे संगतीक वचूनाका." हावें सांगलें.

सांजे हावें अप्पालागीं शंकरण्णाचो पुत रवी विशीं सांगलें. "तो गांवच्या लोकांक भडकायता!" हावें म्हळें. "तो बोणक्याचे पार्टेंत आसा कांय कितें!" हावें दुबाव उक्तायलो .

"कोणाच्यान कांयच करुंक जायनां! आमचे पार्टेन बुन्याद घट दवरल्या. एक फावट रस्तो पास जावन काम आरंभ जांवदी. उपरांत पळे!" अप्पान म्हळें.

रस्त्याक सुवात सोडून दिवपाच्या दस्तावेजांचें परिशीलन चल्लें.

त्या एका दिसा गीता परत वाटेर उबें आशिल्लें.

"आमचें घर रस्त्याखातीर मोडटात खंय!" ताणें म्हळें. "आमचें घर मोडल्यार आमीं खंय रावपाचें?" तें म्हजेलागीं झगडूंकआयिल्लेभशेन उलयलें. "तेन्ना..... आमच्या हक्काचें आमकां मेळच्या वेळार धनयान म्हज्या अप्पाक डिकलेरेशन दिल्लें. तुका घर बांदून दितां..... सुवात दितां... भुरग्यांक शिकपाक फंड दितां अशें सांगून आमकां माकोड केले. ल्हान एक खोंप बांधून दिली. आतां तेच सुवाते वयल्यान रस्तो पासार जाता खंय.... अम्माची भलायकी दिसांदीस इबाडटा. अप्पाकडेन कांय तांकना...! हांव कितें करूं?" तें रडलें.

हावें अप्पालागीं विचारलें.

"दोंगरावयले जमनींत सरकारान तांकां सुवात वांटतां म्हळां" ताणें म्हळें .

"तीं दोंगरावयले जमनींत गेल्यार आमच्या शेतां भाटांनी कोण कसतलो.?"

अप्पा हांसलो. "आमच्या गांवाक रस्तो जातकच आमकां इतल्या कामाचा मनश्यांची कितें गरज? हांव रेडे विकून टिलर हाडटां. ह्या रस्त्यावरवीं सगळे वटेन आमच्या गांवची अभिवृद्धी जातली." आप्पान सांगलें.

"आनी गीता....?"

"हावें सांगलें न्हय! ताका सरकारकडल्यान सुवात हांव खुद्द घेवन दितां! जालें....? सांग ताका! ताणें कांयच भियेंवची गरज ना!"

हावें गीताक सांगलें. तें खूश दिसलेंना .

ह्या दिसांनी गांवचे कांयजाण सांगाताक मेळून रस्त्याखातीर सुवात सोडून दिंवच्याआड रावल्यातअशी खबर आयकली. तांका अप्पान समजायले. तांचो लीडर शंकअण्णाचो पूत रवी मुखार आयलो. "म्हाका सगळी समजणी आसा!" ताणें म्हळें. अप्पान ताका घरालागीं एकसुरो आपयलो. समजयलो. फायदो ना जालो. आपूण मेल्यार लेगीत गरीबांचेर आन्याय जावंक दिंवचोना अशें ताणें सांगलें. रस्तो करपी मशिनांक उजो लायतां म्हणूंक लागलो. अप्पान पोलीस हाडटां म्हूण भेश्टायलो.

त्याच दिसा सुवातीची सर्वे करुंक आयिल्ल्या एका जिपीक उजो पेटलो. पोलीस उबे जाले. अप्पान शंकरण्णाच्या पुताकडेन बोट दाखयलें. खबर मेळून शंकरण्णाचो पूत फाटल्या दारांतल्यान पळून गेलो. शंकरण्णाक आनी ताचे गुरवार धुवेक पोलिसांनी धरून ओडून व्हेलीं.

"पुताक पोलीस स्टेशनार आपवन हाड! ना तर तुजे धुवेक....! सरकारी मशिनाक तुजो पूत उजो लायता?" पोलिसांनी लाठी– धमकी दिली.

गांवच्या सगळ्यांनी भिरांतीन रस्त्याक सुवात सोडून दिली.

शंकरण्णाचो पूत खंय पळून गेलो हें कोणाकच कळ्ळेंना. चार दिसां उपरांत पोलिसांनी बापुय धुवेक सोडलीं. घरा आयिल्ले शंकरण्णाचे धूवेन रातीकडेन बांयत जीव दिलो. ताचें मडें काडून तांचें क्रियाकर्म अप्पानुच केलें. "हलकट पुताक लागुन भयणीक लज जाली.!" अप्पान म्हळें. शंकरण्णा मौन जालो. ताची बायल पिशी जाली.

थोड्याच दिसांनी गांवांत मशिनां देंवलीं. एक मेशीन हातांनी माती खणटालें आनी पांयांनी माती एकठांयकरून ट्रकांनी भरतालें .गांवच्या लोकांक हें नवें! देखुन सगळ्या गांवचे लोक हें मेशिनांचें काम पळवंक उबे रावताले. थोडे तांच्या सांगाताक कामाक लागले आनी पयशे जोडुंक लागले.

ह्या दिसांनी गांवचें गंगय्याचें हॉटेल नेटान चलतालें. "आनीक दोन रसते ह्या गांवांतजाल्ले जाल्यार ...?" तो उत्तेपणान सांगतालो . रातीकडेन त्यांपण्णाची गादी कामगारांच्या खबरांनी जागी !

रस्त्याकाम चलतां चलतां गांवांत नवे मनीस देंवले. सुवाती मोलावंक लागले. थोड्यांनी विकल्यो आनी गांव सोडून गेले. थोड्यांनी शेतां विकलीं आनी आपलीं घरां नवीं केलीं. थोड्यांनी रीण फारीक केलें.

गीता आनी ताच्या घरचीं खंय गेलीं ताची कांयच खबर ना जाली. दोंगरार वयर खंय तरी सरकारान घर दिलां आसतलें, हावें चिंतलें.

चार म्हयन्यांभितर मातयेचो जिवो रस्तो फुलून आयलो. रस्त्याचेर डांबराचें काम जातकच गांवांत सांबार बदल जाले. वाहनां येवंक आरंभ जालो. धुल्ल हुबलो. पांचवी सृश्ट गायब जाली. धुंवर उडलो. आनी निमाणें रस्त्याचें उक्तावण जालें.

हाचे उपरांत म्हजो गांव गांव उरलो ना. गांवांत एकेक करून काँक्रिट घरां जल्माक येवंक लागलीं. आनी पयलींपरस सोबीत जालीं .

गंगय्याच्या गरीब होटेला मुखार कुडलगाराचें एक बरें होटेल उक्तें जालें. आतां गंगय्याच्या हॉटेलांत कोण येना जाले. गंगय्यान शिराप सोडुंक आरंभ केलो. म्हाल्याच्या सलूना मुखार मेन्स ब्यूटी पार्लर आयलें. त्यांपण्णाचे गादये बगलेक बार अँड रेस्टोरंट जालें. सुरेची खोंप बंद जाली. बंदरावयल्या मुसलमान वेपाऱ्याचो सुपर बजार उक्तो जावन कामतिचो जनरल स्टोर बंद जालो.

म्हज्या गांवच्या शेतांत टिलर देंवयिल्लो पयलो मनीस म्हजो अप्पा! रेड्या जोताक विकलें. सारें सोडलें. रासायनीक स्प्रे

उडयलो. जिवीत पयलींपरस सुलभ जालें.

सुमार दोन वर्सां उपरांत एक दीस अचानक गीता म्हाका म्हजे कॉलेजीचे गेटिचेर मेळ्ळें. ज्यूस पार्लरान्त आपवन घेवन गेलें. "आमचो गांव आतां बेस बरो उदरगतीक पावला आसतलो, "ताणें म्हळें. हावें 'हय!' म्हळें. म्हाका खोसजाली. आमकां सरकारान बरीं घरां दिल्यांत, ताणें सांगलें. आमचो सरकार आमची बरी जतन घेता. आतां आमीं पयलेवरी ना. सामकीं खुशी आसां, म्हणूंक लागलें. हावें ताच्या अम्माविशीं विचारलें. "ती मेली" ताणें म्हळें. "कांय नज, बरें जालें. मडें जावन जियेंवच्या परस मडें जावन मेल्लेंच चड बरें" ताणें म्हळें. ताच्या अप्पाविशीं विचारल्यार "ताका कॅन्सर जाला. ताचे पिडेच्या वखदाक लागून हांव काम करतां" ताणें म्हळें. "आमच्या घरा या" म्हूण म्हाका बळयांच आपवन व्हेलें .

अप्पान सांगलेल्या.... सरकारान तांकां दितां सांगिल्ल्या वाठारांत व्हेलें. "सरकाराचीं घरां पळय" ताणें म्हळें. हांव अजापलीं. थंयसर कांयच नाशिल्लें. "हांगाच्या घराचे आशेन अम्मा मेली". गीतान म्हळें. "ती म्हाका थारो दीवंक आशेल्ली."

"तर तुजें घर?" हावें विचारलें.

"शंकरण्णाच्या पुताची कांय खबर आसा?" गीतान विचारलें. हावें "ना!" म्हळें.

"तूं जाणां....? रवीक लागुन पोलिसांनी शंकरण्णाचे धुवेर .... पोलीस स्टेशनांत..... ताच्या बापय मुखार एक दीस आनी एक रात बलात्कार केल्ले खंय! देखून तें लज जावन बांयत उडी मारून मेल्लें.! आनी ताचो बापूय मौन जाल्लो!"

म्हजी तकली घुवुंक लागिल्ली . पांयांपोंदाची भूंय हालताली.

"त्यांप ण्णा मेळील्लो!" गीतान परत म्हळें. "म्हाका वळखलो आनी पयशे मागुंक लागलो. दिले!. गंगय्याचो उगडास येवन ताका विचारलें. ताचें होटेल कोसळोन पडलां खंय. जियेंवच्या खातीर ताची धूव आपले कुडिचो धंदो करता खंय! त्या पयशांनी बापुय आनी धूव दीस सारतात खंय! गांवचीं शेतां पुरल्यांत खंय. भाटां कातरल्यांत..... . गांवचो नक्षाच बदलला. आमच्या गांवाचेर ह्या रस्त्यान बलात्कार चलयला म्हणूंक लागलो. रडलो. म्हजे लागचे पयशे घेवन म्हाका बेसांव दीवन सोऱ्या गादयेर रिगलो. शंकरण्णाचो पूत रवी सारकेंच सांगतालो!" गीता शून्य नदरेन त्या पडींग जमनीकडेन पळेतालें. म्हाका तें तांतूंत ताचें घर सोदता कशें दिसलें.

"गांवच्या उद्धाराखातीर सरकार रस्तो करता म्हूण तुवें सांगलेलें शम्मी.... तूं म्हाका सत सांग! त्या रस्त्यावरवीं उद्धार कोणाचो जाला? आनी...." गीतान आपलें बॅग उक्तें केलें आनी "तुजो अप्पा कालच्या रातीं.....ह्या ताच्या राजकीय पार्टेच्या..... ह्या गळ्यापट्ट्याक म्हजे खाटीर सोडून गेल्लो!" ताणें म्हजो अप्पा गळ्यांत घालता तो पट्टो म्हज्या हातार उडयलो.

"आनी.... ही तुवें आतां पळयता ती सुवात...! तुज्या अप्पन ही तुज्या नांवार केल्या! हे सुवातेमेरेन एक रस्तो करूंक जाय अशें कालचे रातीं तो म्हंटालो. गांवा गांवाची प्रगती जावंक जाय हें तुज़ेकडल्यान ताचे मतींत गेल्लें खंय!"

हांव पुराय कोसळ्ळीं. जितें मडें जावन!

हांव घरा आयलीं. म्हज्या अप्पाचो....., पार्टेचो गळ्यापट्टो हावें अप्पाक दिलो ना. तो लिपयलो आनी मौन जालीं. संपूर्ण मौन! अप्पान अम्मान कारणां विचारलीं. सवालां केलीं. हावें मात तोंड उघडलें ना. म्हज्या मोनेळाक भियेवनअप्पान म्हाका मुंबयची सयरीक हाडून म्हजें लग्न केलें. म्हाकाय हो गांव सोडून खंयतरी पयस वचूंक जाय आशील्लें. म्हाका ह्या रस्त्याचो कंटाळो आयिल्लो. हावें मोनेपणीं स्वताक लग्नाक ओपलीं.

***

"शम्मी....? अचानक अप्पा कसो मेलो? अण्णान कितें सांगलें? गांवाक वचूंक हांव तिकेटिची वेवस्था करूं?" श्रीधरान विचारलें.

"हांव गांवाक वचना! तूं वता जाल्यार वच!" हावें म्हळें. आनी हांव उठून जनेलावटेनं गेलीं आनी जनेलाक मारिल्या लोखणाच्या ग्रिलांमदीं कुंड्यांनी लायिल्ल्या म्हज्या झाडांक पळवंक लागलीं. "म्हजे कसलेतरी एके पिशेआशेक लागुन हीं झाडां जियेतात अशें दिसना?" हांवें म्हळें.

".........!" श्रीधर मौन आशील्लो.


"हीं मरनांत.... कित्याक.... हांकां हांव उदाक घालतां! हीं वाडनात.... कित्याक.... हांचे मातयेंत सत्व ना!"

"आमकां वचचें पडटलें शम्मी! रिती रिवाजा प्रमाण....!" श्रीधरान चड आग्रो करचेआदीं हावें "हूं!" म्हळें.

म्हजी नदर मातयेच्या कुंडेंत लायिल्ले वाळचे भाजयेवटेन गेली. कांय महिन्यांथावन वाडनासताना, मरनासताना आशिल्ली ती आयज मुळाथावनच बावलेल्यावरी दिसली.



मेलवीन जे. वास



# वीज कोंकणी

डा।आसटीन प्रभुच्या संपादकपणाखाल चिकागो थावन येंवचें ई-पत्र

## वीज कोंकणी (कोंकणिंतलें पयलें ई-पत्र)


२०१८ फेबरेर थावन निरंतर पर्गटून येंवचें, कोंकणिच्या चार लिपिंनी पर्गट जांवचें संसारांतलें एक मात्र पत्र.

हऱ्येका हफ्त्यांत कोंकणिच्या वेग-वेगळ्या शेतांत साधन केल्ल्यांची पुर्ती वळोक आटापचें लेखन. कोंकणी साहित्य, कोंकणी खबरो, कोंकणी विचार आटापचें डिजिटल कोंकणी हफ्त्याळें 'वीज कोंकणी'.

'काणीक', 'मित्र', 'झेलो' पत्राचें संपादकपण चलवन आतां 'वीज कोंकणी' पत्राचें संपादकपण चलयता डा।आसटीन डी'सोज प्रभू, चिकागो - अमेरिका. कन्नड, नागरी, रोमी आनी मलयाळम लिपिंनी चडुणें ६० थावन १०० पानांचो एकेक अंको, अशें १४६ अंके निरंतर जावन पर्गटून आयल्यात. डिजिटल रुपार पर्गटून येंवच्या ह्या ई-पत्रान कोंकणी साहित्याक थेंको दिंवच्या इराद्यान पयणारी.कोमसवें दे।विलफी रेबिंबस स्मारक राश्ट्र मट्टाचे कोंकणी साहितीक सर्त चलयता. कन्नड आनी नागरी लिपियेंनी सुर्वातून २०२० वर्सांत तीन लिपिंनी हो स्पर्धो मांडून हाडून, इनामां जिकलेल्यांचीं नांवां वेगिंच घोशीत कर्च्यार आसा.

'वीज कोंकणी' खरेंपणीं 'नीज कोंकणी' देकून कोंकणिचो अभिमान आसच्या, समेसत कोंकणी तालेंताक एक उलो: तुमचीं बर्पां, कोंकणीक लग्ती जाल्ल्यो खबरो, कविता, कथा, लेखन, विशलेषण, तर्जण वा बाळ-साहित्य धाडून दीवंक आमचो इमेयल: veezkonkani@gmail.com

येया, आमी सांगाता मेळून एकामेकाचे हात धरून कोंकणीक मुकार वरुयां



कोंकणिचो सादो सेवक
डा। आसटीन प्रभू, चिकागो

तरजण कविता

# कामगाराचें दोतोराक भाश्य




मूळ: बर्टोल्ट ब्रेख्त
अणकार: शैलेंद्र मेहता


आमी जाणात आमच्या दुयेंसाचें कारण
आमी जेन्ना दुयेंत जातात
उतर सांगता
आमकां बरे करपी तुमीच
धा वर्सांचें, आमी आयकतात
तुमी घेतलां शिक्षण कूड निरोगी करपाचें
शिरबंत कॉलेजींनी
जीं बांदल्यांत जनतेच्या दुडवांनी
आनी तुमी तें गिन्यान मेळोवंक
खर्च केल्या दौलत
हाचो अर्थ तुमी आमकां
निरोगी करूंक शकतात.
पूण खरेंच तुमी आमकां निरोगी करूंक
शकतात?
आमी तुमचेकडेन येतात तेन्ना
आमची मुस्तायकी आसता बोतरां जाल्ली
आनी कान लावन आयकतात तुमी
आमचे नागडे कुडींचो आवाज
सगळेवटेंतल्यान.
पूण सोदूंक कारण आमच्या दुयेंसाचें
आमच्या बोतरां जाल्ल्या कपड्यांचेर नदर
मारल्यार पुरो
एकाच कारणाक लागून झरुन वतात
आमच्यो कुडी आनी आमचे कपडे.
आमच्या भुजांत दुख येता
तुमी म्हंटात ती ओलसाणीक लागून
आनी तेंच कारण
आमच्या घराचे वंटिर आयिल्ल्या
थिगळाचें.
मागीर सांगात आमकां:
हि ओलसाण आयली खंयसावन?
सुमाराभायले कश्ट आनी साप उणें
जेवण
आमकां करता दुबळे आनी हाडावळी.
तुमचें रसैत सांगता:
वजन वाडय.
आनी तुमच्यानी तर सांगुं येता
नुस्त्याक लेगीत झाडार चडूंक
तुमचेकडेन आसाच कितलो वेळ
आमचेखातीर?
आमी देखतात: तुमच्या घरांतल्या
गालिच्याचें मोल
म्हळ्यार तुमी वाशील केल्ली फी
पांच हजार दुयेंतींकडल्यान
तुमी सेर्त खुबळटले
दाखयत तुमची निरागसताय
आमच्या घरांतले वंटीवयलें थिगळ
लेगीत
तीच काणी सांगता

पयणारी–वीज हाणीं २०१९ इस्वेंत मांडून हाडल्ल्या दे।विलफी रेबिंबस स्मारक राश्ट्रीय मट्टाच्या कोंकणी साहितीक स्पर्ध्यांत तिस्रें इनाम मेळल्ली कविता.

इनामीत कविता

# संदिग्ध!

म्हकाय एक गांव!
म्हज्या गांवांत हांव कॉमन मॅन!
हांव गरजेचो ....
फकत गांवांतल्या वोटा दिसा!
वोट मागपी उमेदवार
म्हाका तो अपरिचीत तरी
ताणें ओतून दिल्ल्या चायेच्या विखाक
म्हज्या शिरांचें बळ दिवन
हावें गळ्यांत देववपाचें !
काय म्हाकाय कोण वळखत ?
ह्या भरवंश्यान !

उमेदवाराचे मुखस्तुती फाटले
निरंतर रासलीलेक
म्हजो गांवच खाट जावन
पांयजणांचो सोस ताचें नाचपा साल जावन
म्हजें जिवितच ताचें खाण जावन
आतां तेंच म्हज्या गळ्याक हाडावरी शिरकोन
जियेवंक धडपडपी म्हज्या जिवाक
म्हज्या वोटा मुखार
हांगा खंय आसा मोल?

व्हडलेमांयचे काणयेंत, भुरगेपणार
रायाची धूव दिशिल्ल्या म्हाका
हाणें जिणेचे दनपाराभरार
भांगराळो चंद्रीम दाखयलो!

देखुन....
गळ्यार हात धरून...'
हांवी नाचलों.... आनीं नाचलों!
सपन! हातार भांगर! नदरेंत चान्ने !
काळजा थळा वयलो
काडिल्लो मिठा थेंबो रडोन गळटना
उबेन ताचे
दुरात उडून गेल्लो चंद्रीम
जांगां मदीं हात धरून
हुसकारतना दिसलो.
आनीं म्हज्या पांया पडोन उलयलो
ताणें म्हाकाय तीन पैश्यांक विकलो!

आशिल्ली म्हजी एक मुस्तायकी
सांताच्या उगडासान...
तीच काडून चंद्रीमाक न्हेसयली .
आयदनांत उदक घेतिल्लो चंद्रीम
म्हज्या वोटान जिकिल्ल्याचे पांय धुवंक लागलो.
धुतां धुतां
ताची कुरु म्हाका
नागड्याक....!
परत हांवें
वोट बुथावटेन वचून
म्हजें वोट दामुंक
म्हज्या नागड्यापणाचें अनावरण करचेपासत!
नव्यान!



मेलवीन जे. वास

## With Best Wishes From



# Ava Pearl Saldanha

## Moodubelle

पयणारी–वीज हाणीं २०१९ इस्वेंत मांडून हाडल्ल्या देविलफी रेबिंबस स्मारक राश्ट्रीय मट्टाच्या कोंकणी साहितीक स्पर्ध्यांत इनाम लाभल्लें लेखन.

# कोंकणी प्रचारांत डिजिटल माध्यमांची भूमिका

लेखन

विविधतेंत एकता आशिल्लो आमचो म्हान देश. देशांत विवीध राज्यां, विवीध संस्कृतायो, विवीध वेशभूशा, विवीध भासो आसून तें एक राष्ट्र जावन आसा. आमच्या देशाभोंवतणीं हेर देशांच्यो वंयो आसात. पूण आमच्या देशाभितरल्या भाशा, संस्कृतायांमदीं वंयो नात. कोणेंय खंयचीय भास उलंव येता, खंयचीय संस्कृताय आपणांव यता, खंयचोय धर्म पा पाळुं येता. हरेक भाशेक आपलो उगम आनी इतिहास आसता. बहुसंख्याक उलयतले भाशेक कसलोच धोको ना पूण अल्पसंख्याक उलवपी भास जर ताणीं उलयली ना वा सांबाळ्ळी ना तर कांय काळान ती आटून वचपाचो धोको आसा. अशें परिस्थितींत हरेक भास आनी तांतले संप्रदाय, साहित्य आनी संस्कृती सांबाळप ती भास उलयतल्यांचें कर्तव्य जावन आसा.

आतां कोंकणी भाशे विशीं उलंवचें तर, कोंकणी भास उलंवप्यांचो संसार भोव ल्हान. कोंकणीक संसारांत आपली भास, साहित्य, संप्रदाय आनी संस्कृतायआसा. हांकां पाळो दिल्यार, वा तांची पोसवण केली तर ती आमचेवांगडा वाडटली. पूण ती फकत आमचेसंगींच वाडून पावना; आमी ती मुखावयले पिळगेक उखलासुन दिवंक जाय. आर्विल्ल्या सामाजीक संकेत थळांचेर आयची पिळगी पाश्चात्त संस्कृतायेक भुलोन कोंकणी थावन पयस वचत आसा. तशें जाल्ल्यान एखाद्या प्रॉडक्टाक जायरातिची गरज तशी 'कोंकणी'चे जतनायेक प्रचाराची गरज आसा. कोंकणींत छापील माध्यमान कोंकणी भाशेची जायती पोसवण केल्ल्यान तांकां दीनवास. पूण हांगासर दिल्लो विशय डिजिटल प्रचाराचो जाल्ल्यान हेर माध्यमांक थंयच पूर्णविराम दिवन डिजिटल वावराचेर उजवाड घालतां.

डिजिटल प्रचार : कोंकणीक डिजिटल प्रचाराची गरज कित्याक? हो सवाल हांगासर बिल्कूल विचारचोच पडणार कारण आयचो सगळ्याक पातळील्लो डिजिटल संसार. कोणायकडेन कितेंय विचारल्यार जवाब मेळपाची म्हाका फुरसत ना. आजकाल मीठ मिरसांग धरुन, काजार जावंक व्हंकल वा नवरो लेगीत घरा बसूनूच सोदल्यार मेळटा. खाण, जेवण, न्हेसण वा सोरो हे सयत आर्डर केल्लें सगळें घराच मेळटा. अशें आसतना कोंकणीक डिजिटल टच दिवप भोव गरजेचें. हाचीं मुखेल कारणां ?

१. आयची पिळगी डिजिटल मळार मुखार पावताना आमची कोंकणी फाटीं उरची न्हय .

२. हेर भाशांचें साहित्य, डिजिटल, ऑनलायन मेळटना कोंकणी ताचेथावन वंचीत जावंक जायना.

३. छापील माध्यमांतलें वाचुंक वेळ ना तांकां डिजिटल बरें पडटा.

४. जांचेकडेन वेळ ना, कागदपत्रां सांगाताक घेवन व्हरुंक जायना तांकां मोबायल, कंप्यूटर हांचेर डिजिटल कोंकणी सुलभ जांव येता.

५. छापील माध्यमा मुखवायली व्हड समस्या म्हळ्यार लोकांमेरेन पावपाची तांक (रीच). एक पत्र एखाद्या निर्दीष्ट जाग्यार वेळार पावता तरी, पयसुल्या प्रदेशांनी पावतना घाळपणा जांव येता तर विदेशांत साबा जाग्यानीं पावप कांय फावट असाध्य आसता. पूण डिजिटल माध्यमांवरवीं खिणाभितर संसाराच्या कोनश्या कोनश्यानीं कोंकणी पावोवप शक्य आसा .

६. डिजिटल कोंकणीवरवीं आयच्या आर्विल्ल्या समाजमाध्यमांचेर एकामेकांक लिंक धाडून चड प्रचार करूं येता .

७. बऱ्यो – वायट घडणुको आनी अनिवार्य आशिल्ल्यो गरजेच्यो खबरो तुर्त मेळिल्ल्यान तांतल्यान वेळार मजत करप शक्य.

८. कोंकणीत दिसाळीं पत्रां उणीं. सप्तकी, पंद्राळीं आनी म्हयनाळीं आसात. त्या संदर्भांत डिजिटल कोंकणी तुर्त लोकांमेरेन पावता. वाट पळवची गरज पडना.

९. छापील माध्यमांत खर्च चड जाल्ल्यान डिजिटल माध्यमांत तो साप उणो.

१०. पानांच्या उणावक लागून साहित्याक छापील कोंकणींत सुवात मेळप कठीण जाल्ल्यान डिजिटल कोंकणींत ही समस्या सोडंव येता.

११. खासगी अभिप्राय व्यक्त करुंक छापील माध्यमांत जायतितली संद नाशील्ल्यान डिजिटल माध्यमांत हरेकल्याक आपलो अभिप्राय व्यक्त करूंक मेळटा.

१२. डिजिटल कोंकणींत अक्षरां वाचपासारकीं आनी स्पश्ट आसतात, तेभायर अक्षरां व्हड करून (झूम) पळंव येतात.

१३. आमचें म्हालगड्यांचें साहित्य आनी तशेंच हेर संस्कृतीक वावर डिजिटल कोंकणींत हाडून कोंकणीचो प्रचार वाडंव येता.

१४. आदलें वा आतांचें साहित्य जें डिजिटलार उजवाडाक आयलां तें फायल रूपान सांबाळून दवरुं येता आनी गरजे प्रमाण ताचो वापर करूं येता.

१५. हेर भाशांच्या लोकांक आमच्या साहित्याची, संस्कृतायेची सोंपेपणान वळख करून प्रचार वाडंव येता.

एके समीक्षेप्रमाण संसाराच्या हेर जाग्यानीं छापीलमाध्यम उणे जावन डिजिटल माध्यम चड जालां. तरी फकत भारतांत छापील माध्यम बरेंच विस्तारून आसा. हाका हेर जायतीं कारणा ताणीं दिल्यांत. प्रमूख जावन आसा, इंटर्नेट वापर जायत्या जाग्यानीं जायना, कांय लोक छापील माध्यमांचेर पातयेवन आसतात. वा थोड्यांक छापील माध्यमांत चड समादान मेळटा. पूण फुडल्या दिसानीं डिजिटल माध्यमाची क्रांती सगळ्याक पावतली हातूंत मात्तुय दुबाव ना.

डिजिटल माध्यम आनी कोंकणीची सुरक्षा : डिजिटल माद्यमांत कोंकणीचो आस्पाव करतना सगळ्यांत पयलीं आमचे मतींत येता कोंकणी वेब साईट्स, ई-मेल आनी साहित्य.हांचेवरवीं कोंकणीचो प्रचार जायतो जाता तरी हांतून कोंकणीची सुरक्षा कितली आसा हे पळवप गरजेचें. दाखलो दिवंचो तर सांगचें या माध्यमाचेर वापरिल्ली .

भास आनी व्याकरण

साहित्याचें मोल,

खरी म्हायती,

वैयक्तीक अभिप्राय ,

हक्क आनी अधिकार .

ह्या सगळ्यांची जापसालदारकी संपादकान घेंवची गरज आशील्ल्यान कोंकणेची सुरक्षा ताणें सांबाळुन दवरूं येता. पूण डिजिटल माध्यमावरवीं वैयक्तीक स्वातंत्र्य व्यक्त करचेपासत, आपले अभिप्राय, साहित्य वा हेर विचार खंयच्याय वेबसायटिन न्हयकारीत जाल्यार फेसबूक वा वाटसप सारक्या माध्यमानीं स्वता प्रचार करुं येता.

आमी पळयतात, जायते तरणाटे बरवपी फेसबुकावरवीं तांचे विचार वा तांचें साहित्य परगट करतात. हांगासर हांव कोण चुक वा कोण सारको हें सांगीनासतना तांचेथावन कोंकणीक कसले अपाय/बरेपण मेळुं येता हाचेर सांगतां.

अपाय –

१. कोंकणीच्या नांवान एकामेकांवांगडा वाद घालप.

२. एकामेकाचे पांय वोडप वा हेरांचें नांव पाड करप .

३. भास आनी व्याकरण सारकें वापरिनासतना कोंकणी भाशेचो अपमान करप.

४. फेक न्यूस वा चूक म्हायतीवरवीं वायट देख दिवप. .

५. व्याकरण (आर्थोग्राफी) आनी साहित्यिक मूल्यां हांतूत उणाव आसल्यार हेर भाशेचे लोक वाचून आमच्या साहित्याचें मोल करतात .

६. हीं माध्यमां स्वतंत्र आशील्ल्यान आपणें कितेंय बरयल्यार चलता असो मनोभाव.

बरेपण –

१. व्यक्ती सारकी आसत तर तिचे विचार लोकां मुखार दवरुंक संद .

२. समाजांत जावपी अन्यायाचें खंडन करुंक संद.

३. स्वताचीच एक वेबसायट उत्ती करून आपलें साहित्य वा संगीत लोकांक फुकट पाववपाचो विशाल उद्देश. हाचे वरवीं कोंकणीचो प्रचार वेगान वाडटा. असले यत्न बरोच काळ चालू आसात.

४. आपलें कोंकणी पुस्तक वा हेर साहित्य, पिडिएफ फायलीवरवीं\लोकांक फुकट दिंव येता. (असले पूस्तक काडुंक दानी–वाचकांथावन पाटिंबो मेळ्ळ्यार हें साध्य).

५. असल्या माध्यमांतल्यान एके व्यक्तीक जायत्या हेर साहित्यिक आणि हेर लोकांच्या संपर्कांत रावंक संद मेळटा.

६ आपल्या स्वताच्या साहित्याचो प्रचार करूंक संद .

कोंकणीचें डिजिटलआनी छापील माध्यमांत दर्शन : डिजिटल माध्यमालागीं तुळा केल्यार छापील माध्यमांतल्यान कोंकणीचीं चड पत्रां आसात आनी तीं लोकांच्या मोगाचींआसात. इतलेंच न्हय आसतां, आतां जायत्या पॅरिश वाठारांचीं मुखपत्रां आसात. बरींच कोंकणी खबरांपत्रां घरा घरानीं वचून वर्गणी जमवन, तीं पत्रां तांच्या घरामेरेन आमी पावयतात. तशें जाल्ल्यान तीं चडशीं कोंकणी संवसारांत जीवितआसात. पूण तांचे मुखावयली समस्य म्हळ्यार जायरात एकठांय करपाची. जायराती मेळत जाल्यार पत्र सहज वाडटा. नातर, तांचे कष्ट पत्र चलयतल्यांक बेस बरे खबर आसात.

कोंकणी प्रचारांत पत्रां सांगाताक कोंकणी पुस्तकांय मुखेल वांटो घेतात. साहित्य, संस्कृती, रांदपाचीं, वखदांचीं, शब्दकोश, काणी, कादंबरी, लेखनां आनीक हेर जायतीं पुस्तकां हरेक वर्सा पर्गट जातात. पूण अशें पर्गट जाल्लीं पुस्तकां कितल्या लोकांमेरेन पावतात हो प्रस्न विचारप गरजेचें. आदीं हरेक घरांत पुस्तक विकतें घेवन वाचताले. पूण आयज तसली परिस्थिती ना. पांचशीं कुटुंबां आशिल्ल्या एका पॅरिशाक कोंकणी पुस्तक विकुंक गेल्यार फकत सरासरी वीस ते पंचवीस, म्हळ्यार ५ टक्के. एका तरणाट्या वाचप्यान दिल्ली जाप हालींच हांवें इंटर्नेटाचेर वाचली. 'हांव फकत ई–बूक फॉलो करतां.' ताच्या प्रमाणें हें सारकें आसूं येता. छापील जांव या डिजिटल, तो वाचता हीच संतोसाची आनी अभिवृद्धीची गजाल. कांय तरणाटे कांयच वाचीनात तें एक दुर्येस. आमच्या डिजिटल माध्यमांत ई–पत्रां, वेबसायट्स आसात, पूण ई–बुक्स नात वा उणीं आसात. आमच्या पुस्तकांक ई–बुक्सांत बद्लायलीं जाल्यार त्या पुस्तकांचो वापर चड जातलो. पूण दुखाची गजाल म्हळ्यार असल्या पुस्तकांतल्यान फायदो जोडुंक जायना. भाशेचें – गिन्यान वाडवपी, शब्दकोशासारक्या पुस्तकांचें मोल ५०० रू. थावन १००० मेरेन आसा. सादारण वाचप्याक असलें पुस्तक विकत घेवंक कठीण आसता. ई–बुक मेळत तर ताका आदार जातलो. .

आमचेकडेन सगळीं पुस्तकां ई–बुकांत घालप शक्य कारण आमचो कोंकणी संसार ल्हान. समेस्त आदलीं आनी आतांचीं पुस्तकां ई–बुकांत बदलावपाची गरज आसा. चड करून तरणाट्या बरवप्यानीं वा कोंकणी विद्यार्थ्यांनीं कन्नड बरह वा नुडी तंत्रगिन्यान शिकची गरज आसा. जर सगळीं पुस्तकां ई–बुकांत येवन वाचप्यांक मेळत जाल्यार कोंकणीच्या पुस्तक भांडारांत एका वेगळ्या नव्या यूगाचो आरंब जातलो.

डिजिटल विशीं हेर प्रयोग : डिजिटल वेबसायटींनीं, ई–पत्रांनी कोंकणीचो प्रचार बरोच जाता ही खोशेची गजाल. पूण नवीं आव्हानां कितल्या मेरेन वाचप्याक धरुन दवरुंक शकल्यांत? ह्या दिसानीं थोडे तरणाटे बरवपी तांच्या विचारांनी, बऱ्या, वाचप्यांक लागीं हाडपी बरपान बऱ्याच वेबसायटींक यशस्वी करुंक कारण जाल्यात ही संतोसाची गजाल. ह्या भायर कोंकणी वाचप्यांक बांदून दवरप हें एक नवें साहस. हाका लागून थोड्यानीं डिजिटल प्रचारांत जायते नवे प्रयोग हाडल्यात. हांतून बदलावण म्हळ्यार हें प्रयोग साहित्य वाचुंकच लायनात तर पळोंवंक आनी आयकुंक दितात. हांव तांच्या नांवांचो उल्लेख करिनासतना फकत तांच्या प्रयोग विशीं म्हायती दितां.

यू ट्यूबावरवीं ल्हान भुरग्यान्क कोंकणीच्या व्हडपणाच्यो

काणयो सांगपाचो प्रयोग. हातूंतल्यान आमची काणी सांगपाची संस्कृताय जीवित उरतली आनी भुर्ग्यांमदीं कोंकणीचो मोग वाडटलो.

फेसबुकार आनी यू ट्यूबार कोंकणी कविता सादर करपाची सर्त तरणाट्यान्क तशेंच भुर्ग्यांक उर्बा दिता .

नव्या कोंकणी सी डी ची ऑनलायन विक्री.

वैयक्तीक कोंकणी वेबसायट्स केन्नाय परत उक्त्यो करून गीतां आयकुपाची संद.

कोंकणी कविसंमेलनांचें लायव्ह प्रसारण

रेडियोवयल्यान आपल्या काणयांचें वा प्रबंधांचें प्रसारण करून ते रेकॉर्ड केल्यार सिडी रूपांत विकूं येत. अशें केल्ल्यान तें केन्नाय खंयच्याय वेळार आयकूंक मेळटा.

कोंकणी लायव्ह टिवी आनी रेडियो हें बळवंत माध्यम.

कांयजाण शेर्मांव, दिस्पट्टी सुवार्ता, कांतारां हांचे विडियो वा ऑडिओ रेकॉर्डिंग करून कोंकणींचो प्रचार करतात.हांचोय कोंकणी प्रचाराक भोव उपेग जाता .

वेबसायटींनी प्रसारित जाळी बरपावळ जायतो काळ थंयसर आसतात देखून व्हड काळामेरेन उपेगी आसतात. बऱ्याच वेबसायटींनी जायते नवे नवे आनी विवीध संवादाचे मार्ग आपणायतात. पूण विडियो पळवपाचें आनी आयकुपाचें आकर्शण चडआसा आनी तांचो परिणामय प्रभावी आसता.

डिजिटल कोंकणीची परिणामकारकता: डिजिटल संसारांत डिजिटल कोंकणी केन्नाच फाटीं उरची ना. आमच्यो कोंकणी वेबसायट्स आर्विल्ल्या डिजिटल माध्यमांत बऱ्याच उंचेल्या पावंड्यार आसात हातूंत दुबाव ना. हांगासर तांकां सुदारपाखातीर सांगचें अशें खास कांयच ना तरी कांय गजालींचेर ताणीं लक्ष दिल्यार त्यो अदीक बळिश्ट जातल्यो.

१. बऱ्या आनी उंचेल्या पावंड्याच्या साहित्याक चड प्राधान्य दिवंचें.

२. हेर भाशांतलें साहित्य आमच्या वेबसायटींनी प्रसारित करचें. हातूंतल्यानआमकां हेर भाशांतल्या. साहित्याची वळख जाता. आमचेंय साहित्य तांच्या वेबसायटींनी पावत जाल्यार आमकां व्हडलें विचारपीठ गावता.

३. फेक खबरांकडल्यान पयस रांवचें.

४. हेर साहित्याची निंदा वा नाकाजाल्ली टीका आडावची.

५. डिझाईन, फॉन्ट, चित्रां, मांडावळ असल्या गजालींचेर लक्ष दिंवचें. तेन्नाच वाचप्याक वाचप सहज आनी आकर्शक आसता .

६. आमचे संस्कृती आनी सद्याचे समाजीक परिस्थितीविशीं बरपावळ, विचार हांचो चड प्रयोग करचो. हातूंत तरणाट्या बरवप्यांक एक पीठ मेळटा.

७. विद्यार्थी आनी तरणाट्या वाचप्यां आकर्शित करचे.

८. साहित्यिक आनी हेर सर्ती घडवन हाडच्यो .

आपरोस : कोंकणी आमची मांय भास, आमकां ती जाय. वेगान बदलतल्या संसारांत तिका सांगाताक घेवन चलप आयचे पिळगेमदीं इल्लें न्रासाचें जालां. हो धोको मातींत दवरून जायते कोंकणी वेबसायट्स आनी ई–पत्रां बऱ्याच काळासावन उजवाडक येतात ही संतोसाची गजाल. कोंकणीचो मोग आनी अभिमान आमकां तिच्या लागीं दवरता. आमचीं भुर्गीं आज आपलो फुडार घडवंक लंडन, अमेरिका वा हेर देशांनी पावल्यात आनी कोंकणीकडल्यान पयसावल्यात देखून तांकां दोश दिवप समा न्हय. गांवांतूय बरेच जाण आमच्या भुर्ग्यांनी इंग्लिश शिकचें असो हट करतात; आसूं, आतां परत हांगासर तांकांय दोश दिवप समा न्हय. पूण आयच्या बळवंत माध्यमांवरवीं दाखवन दिवया, आमचे कोंकणी भाशेंत कितली गिरेस्तकाय आसा, भोगणां आनी सिंतिमेंतां आसात, अपुयबायेची संस्कृताय आनी संप्रदाय आसात, गांवचे मातयेचो स्वाद आसा, कुटुंबांचो मिलाप आसा. एकाच वाक्यान सांगचें, तर आमचें अस्तितवूच तांतून लिपुन आसा हें दाखवन दिवपाची उत्ती संद लाबल्या. ही संद आमी वापरुया, माध्यम खंयचेंय जांव कोंकणी जिवित दवरुया.



रोशू बजपे

पयणारी–वीज हाणीं २०१९ इस्वेंत मांडून हाडल्ल्या देविलफी रेबिंबस स्मारक राश्ट्रीय मट्टाच्या कोंकणी साहितीक स्पर्ध्यांत पयलें इनाम मेळल्ली कविता.

इनामीत कविता

# पावस कोणाचो?

तूं म्हणटा पावस कोणाचोच नासता
तो म्हजो न्ही जाल्यार
तो वतकच हांव कित्याक
ताच्या चिंतनांनी आसतां?

तू म्हणटा पावस कोणाचोच नासता
तो तुजो न्ही जाल्यार
ताच्या यादिंनी तूं
मुमुरखोच कित्याक हांसता?

तूं म्हणटा पावस कोणाचोच नासता
त्या मोग्याक केन्ना विचारलां?
तो येना जाल्यार
ताचें काळीज कित्याक लासता?

तूं म्हणटा पावस कोणाचोच नासता
त्या विरह्याक केन्ना विचारलां?
फाटल्या खिणांची पांवळी
कशी काळजाक दसता?

तूं म्हणटा पावस कोणाचोच नासता
शेतकाराक केन्ना विचारलां?
शेता मेरेर तो
कोणाची वाट पळयत बसता?

तूं म्हणटा पावस कोणाचोच नासता
माणकुल्या भुरग्यांक विचारलां?
पोरन्या पुस्तकाच्या पानांचें
व्हडें कित्याक करीन दिसता?

तूं म्हणटा पावस कोणाचोच नासता
धरतरेक एकदां विचार
पांचवो दुवाळो लागून
तिच्या गर्भांत कोंब
कशे उपरासतात?

तूं म्हणटा पावस कोणाचोच नासता
मळबाक मात्शें विचार
ताचो कंठ दाटून
कुपांचेर कुपां कित्याक घासता?

तूं म्हणटा पावस कोणाचोच नासता
झाडां पेडांक विचार
नवे कोंबरेक
आस कोणाची आसता?

तूं म्हणटा पावस कोणाचोच नासता
रानावनांक विचार
रानजीवांचो जीव
कोणा आशेन भुल्लुसता?

तूं म्हणटा पावस कोणाचोच नासता
पाख्यावेल्या नळ्याक
दारांतल्या खळाक
पोरसांतले जायेक
काळजांतले मायेक
आंगणांतले वेलीक
आशेल्ले हुयेलीक
कुळागरांतल्या माडाक
सवण्यांच्या बीराडाक

केन्ना विचारलां? पावस कोणाचो
मोग्याचो विरह्याचो
शेतकाराचो माणकुल्यांचो
वयल्या निळ्या मळबाचो
धरतरेच्या गर्भाचो
नवे कोंबरेचो
जाये मोगरेचो
सुकण्या पीलांचो
कुपां किजीलांचो
आळवा पर्णांचो
हरणा बीरणांचो

पावसाक केन्नाय विचार

पावस कोणाकोणाचो
पावस सगळ्या जाणांचो
घडये तुजो म्हजो वेगळो
पूण पावस दर एकल्याचो
पावस दर एकल्याचो



उर्जिता भोबे

## ••• Best Wishes From •••




## Alphons, Reshma, Aubin & Alicea

**Canada**

# ST ALOYSIUS COLLEGE
## AUTONOMOUS

• Excellence in Education over 140 years • Re-Accredited by NAAC with 'A' Grade – CGPA 3.62 out of 4 • 3rd Rank in Swachh Campus Scheme by MHRD, Govt of India • Recognized by UGC as 'College with Potential for Excellence' • Awarded 'Star Status' by DBT, Govt. of India - one among 17 colleges in India • Ranked 94 in India and 2 in Karnataka by NIRF, MHRD, Govt. of India

Post Box No. 720, Light House Hill Road, Mangaluru 575003, Karnataka Ph: 0824-2449700, 2449701 Fax: 2449705
Email: principal_sac@yahoo.com | Web: www.staloysius.edu.in



## UNDER GRADUATE COURSES

### BACHELOR OF ARTS (BA)

SUBJECTS OFFERED - HISTORY • ECONOMICS • POLITICAL SCIENCE • SOCIOLOGY • JOURNALISM • PSYCHOLOGY • ENGLISH MAJOR • COMMUNICATIVE ENGLISH • KANNADA MAJOR • COMPUTER ANIMATION • SOCIAL WORK • PERFORMING ARTS



### BACHELOR OF SCIENCE (B.Sc.)

SUBJECTS OFFERED • PHYSICS • CHEMISTRY • MATHEMATICS • COMPUTER SCIENCE • COMPUTER ANIMATION • ELECTRONICS • STATISTICS • BIO CHEMISTRY • BOTANY • BIO TECHNOLOGY • MICRO BIOLOGY • ZOOLOGY • MATHEMATICS, STATISTICS & ECONOMICS

• B.Com. B.Com. (General) • B.Com. (Embedded with ACCA) • B.Com. (Industry Integrated) • B.Com. with additional coaching for Professional Courses • B.B.A. (General) & BBA - (CIMA) • B.B.A. with additional coaching for Professional Courses • B.C.A. & B.S.W. : As per the Regulations

**LANGUAGES OFFERED:** English, Hindi, Kannada, Konkani, Sanskrit, Additional English, Malayalam, French

## POST GRADUATE COURSES

- M.Sc. Analytical Chemistry
- M.Sc. Bio Chemistry
- M.Sc. Biotechnology
- M.Sc. Chemistry
- M.Sc. Mathematics
- M.Sc. Physics
- M.Sc. Counselling
- M.Sc. Food Science & Technology
- M.Sc. Food Science, Nutrition & Dietetics
- M.Sc. Corporate Psychology
- M.Sc. Big Data Analytics
- M.Com. Finance & Analytics
- M.A. English
- M.A. Economics
- MSW Master of Social Work
- M.A. Journalism & Mass Communication
- MCom. Regular

1. Eligibility for P. G. Courses 45% marks in the optional subjects at the Degree level and other requirements as per the Regulations. 2. BBM students are eligible to apply for M.Com.

## KAUSHAL KENDRA
**Courses Offered: B.Voc. Bachelor Programme**
1. Pharmaceutical Chemistry
2. Food Processing & Engineering
3. Retail Management
4. Animation & Multi Media

## COMMUNITY COLLEGE
**Certificate Programmes:**
1. Computer Animation & Networking
2. Travel & Tourism

## POST GRADUATE DIPLOMA COURSES
- Biotechnology Skill Enhancement Programme (BiSEP)
- Business Management (PGDBM)
- Human Resource Management (PGDHRM)
- Diploma in Library & Information Science
- Diploma in Vermi-Technology
- Diploma in Konkani Language

## CERTIFICATE COURSES
A number of Certificate Courses are offered by various departments of the College.

**ST ALOYSIUS INSTITUTE OF CIVIL SERVICES**

**Admissions OPEN**

**WE OFFER** • SCHOLARSHIPS to Meritorious Students at both UG & PG levels • LOAN FACILITIES to the PG Students

Applications are available at the college office or can be downloaded from net

**HOSTEL FACILITIES AVAILABLE FOR GENTS & LADIES**

**AIMIT, SAC - BEERI CAMPUS Ph: 0824-2286881/82**
• M.B.A • M.C.A • M.Sc. Software Technology • M.Sc. Bio Informatics • M.Sc. (Big Data Analytics)

With Best Wishes From



Denis
&
Leena Castelino

Puthrottu, Moodubelle

With Best Wishes From

Thomas Alva
&
Family

Moodubelle

# डिजिटल कोंकणी साहित्य – डिजिटल ऑडिओ बूक

लेखन

२००१ वर्सा मानेस्त वल्ली क्वाड्रस हाणें "आशावादी प्रकाशन" सुरवात करतना कोंकणींत डिजिटल वावर करपाचो मुखेल इरादो मतिंत दवरून आशावादी मिशन सुरू केलें. आशावादी प्रकाशनाची थोडीं मिशन्स हे परीं आसलीं.

१. डिजिटल कोंकणी साहित्य प्रकाशन – कन्नड, रोमी आनी नागरी लिपयांनी साहित्य प्रकाशन.

२. पुस्तक रुपान साहित्य प्रकाशन – विवीध बरवप्यांचे कोंकणी साहित्य, कविता, लेख, कथा आदी पुस्तकरुपान प्रकाशन.

३. कोंकणी अध्ययन आनी संशोधन – कोंकणी कथा, कवितांचेर अध्ययन कार्यशाळा आनी समीक्षा.

४. कोंकणी अभियान – कोंकणी पत्रांक/पुस्तकांक /संगीत संग्रहांक फाटबळ दिवंच्या इराद्यान घरान घर वचून विक्री करून, वर्गणी, जायराती जमा करून सहाय दिवंचें काम.

५. कोंकणी कलागुण / साहित्यिक सर्ती – कविता, कथा, लेख आदी, "दायज.कोम, पयणारी.कोम वरवीं.

वाचपी उणे जावंच्या आनी इंग्लिश भाशेक चड म्हत्व दिवंच्या ह्या काळार कोंकणी भाशेक उर्जीत करुंक आनी कोंकणीचें बळगें वाडवंक डिजिटल माध्यमांचो प्रयोग करप ही काळाची गरज. बरवंक वा वाचुंक नेणा आशिल्ल्याक लेगीत डिजिटल ऑडिओ वरवीं आयकुन ताची रूच चाखूंकशकता. कोंकणेची वाड होच ह्या प्रयोगाचो प्रमूख उद्देश. विवीध लिपयांनी कोंकणी बरवपी आमकां, लिपयेची आडखळ नासतना फकत आयकुन समजुं ही सोपी वाट. जागतीक लेखकांचें साहित्य आमच्या लोकांमेरेन प्रसारुंक ही एक बरी संद.

"बरवच्यापरस वाचप सोपें, वाचच्यापरस आयकप सोपें" – हो विचार मतिंत घेवन २०२० वर्सा आशावादी प्रकाशन वीस वर्सां सोंपयताना, आनी *poinnari.com* वेबसायटीक पांच वर्सां जातासर, २०१८ वर्साच्या नवेंबराच्या १६ तारिखेर यूव्यूबार, 'कथादायज' चॅनेल सुरू करून लघु कथा डिजिटल ऑडिओ पुस्तकाच्या रुपान प्रसारीत करुंक सुरवात केली आनी प्रसारीत करीत आसा. हाचे वरवीं जागतीक मळार यूव्यूबार कथा आयकूंक सोपें जालां.

हाचेआदींच डिजिटल प्रसारा वरवीं डिजिटल ऑडियो पुस्तकांतल्यो कथा पयणारिच्या कथादायज आकांत तशेंच यूव्यूब चॅनेलार २३ वेगवेगळ्या जाणांनी सादर केल्यात.

सूर्यो उदेता ह्या माथाळ्याखाल डिजिटल ऑडियो पुस्तकांत, राष्ट्रीय पावंड्डार फामाद जाल्ल्या लेखकांच्यो कथा वेंचून संपादन केल्ल्या पुस्तकांतल्यान घेतल्यात. दोन लिपयांतलें हें पुस्तक कर्नाटक कोंकणी आकाडेमीन २०१९ वर्सा उजवाडाक हाडलें. राज्य – प्रांतांतल्यो बोलयो लिपयांची शिमो हुपून डिजिटल करपाची येवजण केली आनी हें कार्य तडीक पाववंक गोंय, मंगळुर तशेंच विदेशांतल्या कोंकणी मोगींनी फाटबळ दिलें. ताणीं एकेक कथा भोव बरे रितीन सादर करून धाडली. आयजमेरेन २७ कथा प्रसारीत जाल्यात. वेगवेगळे

कथाविशय, बांदावळ, तांत्रिकता हे भायर भाशेंतली विविधता

तातूंत आसा आनी आयकुप्यांक ह्यो कथा खूप आवडटात म्हूण ताणीं आमकां धाडिल्ल्या संदेशांवरी समजता. ह्या प्रयोगाक जागतीक आयकुप्यांकडल्या मेळील्लो भरपूर प्रतिसाद पळवन मायानगरी नांवाचो मुंबय परिसर / जिविताच्या कथांचो (तिसरें ऑडियो पुस्तक), 'सूर्यो उदेला (राश्ट्रीय पावंड्यावयल्यो कथा – चवथें ऑडियो पुस्तक)', तशेंच 'कथामृत' पांचवें ऑडियो पुस्तक तयार आसून, 'कथाझर' हें सवें ऑडियो पुस्तक वांगडाच प्रचारीत जाल्लें आमकां आयकुंक मेळटा .

व्यस्त आशिल्ल्या आयच्या संसारांत डिजिटल माध्यमांनीं प्रसारीत करपाचो हो प्रयोग जागतीक मळार लोकाक पसंत पडला हाचो दाखलो म्हळ्यार आयकुप्यां थावन आयिल्ल्यो सुचवण्यो, भावना आनी म्हायती. हीच प्रेरण फुडल्या डिजिटल ऑडियो चॅनेलाच्या येवजणींक फाटबळ जावन आसा.

डिजिटल माध्यमां आमचें भविश्य. अशें आसतना डिजिटल ऑडियो फूडल्या दिसांनी प्रमूख जातलें हातूंत कांयच दुबाव ना. पूण अजून चड प्रमाणांत लोकांचो सहकार आनी फाटबळ गरजेचें. कोरोना पिडेक लागून लॉकडाउन सुरू जातना डिजिटल ऑडियो प्रयोग कांयजाणानीं विवीध रूपांनी केला. थोड्यानीं कविता, थोड्यानीं कोरोनाविशीं म्हायती आदी, डिजिटल ऑडियो प्रसारा द्वारीं लोकांमुखार हाडलांआनी आयकुप्यांचो संख्याय वाडल्या.



प्रसन्न निड्डोडी
मिरारोड – मुंबई


कविता

# प्रकृती आनी मनीस

सुरंगां कशें वत
पिकेवेल्या शेतार
उदेता नक्षी तशी
मेथ्येच्या हातार.

शेताचेर भोंवर
भीऱ्यांची तिर्पी
सूऱ्याची सावळी
मनार धर्पी.

सळसळपी वाऱ्यार
वाचतां झाडांचीं पानां
जोगलावता शिरंत्रां
रगतांतलीं केणां.



माधव बोरकार

With Best Wishes From



Vijay Mascarenhas
USA

# With Best Wishes From



## Magdalene Barboza & Family

Shirva

पयणारी-वीज हाणीं २०१९ इस्वेंत मांडून हाडल्ल्या 'देविलफी रेबिंबस स्मारक राश्ट्रीय मट्टाच्या कोंकणी साहितीक स्पर्ध्यांत' आयिल्लें लेखन

# डिजिटल माध्यमाचेर कोंकणी साहित्य

लेखन

एक व्यक्ती वा एका समुदाया भितर बदल हाडचेपासत सगळ्यांत पयलीं तांचें चिंतप बदलप हें म्हत्वाचें काम. एक चिंतप बदलाप वा आसा तें ना करप सुलभ काम न्हय. ती एके मांडावळेन करपाची प्रक्रिया. संसाराच्या खंयच्याय यशस्वी फुडाऱ्याचे जिणेंत हाचे दाखले वाचुंक मेळटा. चिंतप बदलप म्हळ्यार मार्केटेंत एके वस्तूचें वा सेवेचो ब्रांड निर्माण केल्लेपरीं. मालकान लोकांक सांगच्यापरस चड लोकांनी एकमेकांक सांगल्यार, तो ब्रांड वेगीं लोकांमोगाळ जाता. चिंतप बदलुंच्या कामाकय ही तुळा लागू करून येता.

एखाद्या समुदायाक, ताची सामाजीक आनी संस्कृतीक जीण स्वताची वळख करून दिता, आनी ह्या सामाजीक आनी संस्कृतीक जीणेचें प्रतीक जावन आसा साहित्य. *'Litrature is a comprehensive essence of the intellectual life of a nation.'* अशें विलियम शेक्सपियर म्हंटा. साहित्य आनी ताचो प्रसार एके व्यक्ती वा सामुदाया थांय जागृती हाडुंक, बरें वायट दाखवन दीवन मुखेक म्हळ्यार चिंतप बदलुंक सहाय करता .

भाशेच्या आदाराचेर साहित्य वाडटा, भास उलयल्यार ती जीवंत उरता हें सत, पूण भास विस्तार जावंक जाय तर ते भाशेंत साहित्य रचना करुंक जाय ही वस्तुस्थिती जावन आसा, साहित्य म्हळ्यार हांतूंत कादंबरी, कविता, हास्य विडंबन, नाटकां, मटव्यो काणयो, चरित्रां, अत्म-चरित्रां, अणकार, रुपांतर, लोकवेद, जानपद साहित्य आनी खासा जावन समयाप्रमाण सामाजीक, राजकीय आनी धर्मीक लेखनां. हे सगळे साहित्याचे विवीध प्रकार समुदायांचें चिंतप बदलुंक सहाय करतात, पूण अशें जावंक जाय जाल्यार साहित्याचो प्रसार मुखेल जावन आसा.

प्रस्तुत परिस्थितींत साहित्य प्रसाराचीं दोन मुखेल माध्यमां आसात. प्रिंट (छापो) आनी डिजिटल. प्रिंट मीडीय वा छापो हाचो उल्लेख क्रिस्त पूर्व २२० इसवी सना थावन आसा जाल्यार, प्रिटिंग प्रेस सुरू जालो १५ व्या शतमानंत. प्रिंट मिडियावरीं कन्नड लिपिंत कोंकणी साहित्य घरां-घरानी पावलां हातूंत कांयच दुबाव ना. १८८० चा दशकाचें 'उदेंतिचे साळक' १९१० दशकाचें 'कोंकणी दिर्वें' आनी 'साजेंचे नेकेत्र' उपरांत प्रगट जाल्लो राकणो, पयणारी, आमची मांय, सेवक, झेलो, काणीक, मित्र, दिवो, आनी 'उज्वाड' प्रिंट मिडियाचेर लोकामोगाळ जाल्यांत. तांचेवरवीं सबार लेखकांनी प्रिंट मीडियाचेर कादंबरी, काणयो, कविता आनी लेखनां बरवन कोंकणी भाशेचे साहित्य वाडावळिंत सहकार दिला.

विसाव्या शतमानांत आयिल्या कंप्यूटर आनी तांतूंत जाल्या अविश्कारांनी मनश्यान जियेवंची रीत बदलून सोडली. प्रत्येक बरयल्ल्या, वाचिल्ल्या, पळयल्ल्या आनी आयकल्ल्या विधानांनी नवेपण आयलें, असो डिजिटल मिडियाचो जल्म जालो. साहित्याच्या खंयच्याय प्रकाराक इलेक्ट्रॉनिक उपकरण तयार करुन, सांबाळून *(Storage)* प्रसार करप हें डिजिटल मीडियाचे काम. दाख = लो दिंवचो जाल्यार, डिजिटल गेम्स, विडियो, वेब-सायट, सोशल मीडिया, इलेक्ट्रॉनिक बूक, डिजिटल ऑडियो.. आदी.

डिजिटल मिडिया प्रिंट मिडियाक बदली करता अशें चिंतप आसा पूण हाका स्पश्ट पुरावे नात. जायरात आनी खबरो विस्तारावच्या पासत डिजिटल मिडियान बरो प्रभाव घाला. कन्नड लिपिंत कोंकणी साहित्याचेर डिजिटल मिडियाचो प्रभाव ना म्हण सागोंक जायनां.



www.daaiz.com

साहित्यिक नदरेन पळयल्यार २००१ त *www.maibhas.com* वेब– सायट आरंभ जाली. ताच्या उपरांत २००३ त www.daaiz.com आरंभ जाली. दोनूय वेब–सायटींनी डिजिटल मिडियावरवीं प्रचारांत नवेपण हाडुंक यत्न केले; साहत्यिक प्रकाशनां, साहित्यीकी सर्ती, साहित्यिक कार्यशाळा आनी साहित्यिक खबरो हातूंत मुखेल. फाटल्या १०–१२ वर्सांनी कोंकणी मुळाथावन आयिल्ल्या वेब–सायटींनी, हेर भाशे सांगाताक, कोंकणी साहित्याच्या हर प्रकाराक संसारभर कोंकणी लोकांमेरेन पावयले, दायजी वर्ल्ड मिडियाचें काम हांगा एक उंचले उदाहरण जावन आसा. २००५ त *www.kavitaa.com* वरवीं कन्नड आनी देव–नागरी लिपिंत कोंकणी साहित्याचो प्रसार सुरू जालो. २०१५ त प्रारंभ जाल्या *www.poinnari.com* हातूंत कन्नड, देव–नागरी आनी रोमी लिपिंत कोंकणी साहित्य प्रकाशीत करतना , 'वीज ' ई–पत्रान २०१८ त कन्नड तशेंच २०१९ त देव–नागरी, उपरांत रोमी आनी मल्याळम लिपिंत कोंकणी साहित्याचो प्रसार सुरू केलो.

हांगासर मतींत येंवचो विशय म्हळ्यार, डिजिटल मिडिया एक साहित्य वा चिंतप जें लिपी मदलें अंतर उणें करुन चड आनी चड लोकांक वाचुंक मेळच्यापासत संद दिता. हें भोव गरजेचें कारण, कोंकणी म्हळ्यार एका प्रांताची, एका समुदायाची, वा एका राज्याची भास न्हय, कोंकणी पांच लिपयांनी, चार राज्यांनी, कांय चाळिसां वयर बोलिंनी उलयतात. देखून एके लिपिथावन एके बोलिथावन दुसरे लिपी/बोलिच्या वाचप्यांक साहित्य पाववच्याखातीर लिपियांतर तशेंच बोलियंतर गरजेचें. कोंकणी साहित्याक असल्या लिपियंतर कामांत डिजिटल माध्यमाचो उपेग जाला हें प्रशंसनीय जावन आसा.

हीं सगळीं वाचचीं विधानां तर, डिजिटल मिडियचे अनेक विदान आसात, हातूंत अविश्कराचे नदरेन सबार प्रगती जाल्या पूण कोंकणी साहित्यान हाचो फायदो केल्लो दिसना. *www.poinaari.com* हातूंत सबार काणयो ऑडियो रुपानय आयकुंक मेळटात जाल्यार, ह्या ऑडियो बूक माध्यमाक लोकांनी अपणावन धरुंक ना. २०१८ त 'कथादायज' ह्या यूट्यूब चॅनलाचेर सुरवात करून आयज मेरेन विसांपरस चड कोंकणी मटव्यो काणयो प्रसारीत जाल्यात. आनी ह्या काणयांचो प्रसार समाजीक माध्यमांनी तशेंच वाटसापाचेर जावन आसा देखुन परगावांत आशिल्ल्या जायत्या कोंकणी भाशिकांक लिपिची समस्या नासताना आयकुंक एक बरो अवकास.

कोंकणी साहित्याच्या डिजिटल मिडियाचेर एक सादारण नदर घाल्यार कांय खाशेलपणां दिसून येतात हातूंत प्रमूख जावन आसात:

१– जायरात, खबरो, नाटक आनी सिनेमांत डिजिटल मीडिया आनी तातूंत आशिल्लें नवेंपण थोड्या मळार तरी प्रयोग करून प्रसार केलां, पूण कोंकणी साहित्याचो प्रमूख प्रकार जावन आशिल्ल्यो कादंबरी, मटव्यो कथा आनी कविता प्रिंट मिडियाचेर प्रगतेक पावल्यांत, डिजिटल मिडियाचेर साहित्याचो हे प्रकार थोड्या वेब सायटींनी मेळटात पूण, विडियो, ई–बूक आनी ऑडियो बुकाचेर जाल्ल्या वावराची म्हायती मेळना. पूण *www.kavitaa.com* आनी *www.kittall.com* आनी *www.poinnari.com* ह्या प्रकारांनी खूब वावर करतात हें तांच्यो वेब सायटी पळयतना दिसुन येता. आनी धादोसकायेची गजाल म्हळ्यार ह्या तीनय वेब सायटींचे संपादक स्वता कवी, कथाकार तशेंच समीक्षक आशिल्ल्यान हांचो वावर वेगवेगळे दिशेन पूण कोंकणी विस्तारचे नदरेन खूब महत्वाचो. कविता.कॉम – चड करून कवितेचेर वावर कर्ताना, किटाळ.कॉम – कोंकणी साहित्य आनी माध्यमाचेर वावर करून आसा तर पयणारी.कॉम समग्र रितिचो कोंकणी साहित्यिक वावर करून आसा. हातूंत राश्ट्रीय पावंड्यावयल्यो कोंकणी साहित्यिक सर्ती भोव म्हत्त्वाच्यो.

२ – आयज लोक चड वाचिनात, लोकांक डिजिटल मिडियाचेर चित्रां आनी खेळ पळोवंक बरें दिसता, पूण चिंतनशील अर्थभरीत उतरांनी बरयिल्लें वाचुंक नाका असो शीण आयकोंक मेळटा. हांगासर, लोकांक चड नवेपण आसा थंय ध्यान दिंवची गरज अशें जाणवता .

दाखल्याक, वाचप आनी आयकप वेगवेगळें, कितलेंय बरें बरयिल्ले सारकें वाचिना जा ल्यार, तें आयकातल्याच्या मनाक भिडना. कथा, कादंबरी वा कविता एक ऑडियो बुका रुपान प्रगट जाताना तें बरे भशेन प्रस्तुत करपाची, आनी गरज पडल्यार बरापावळींतलीं उतरां बदलपाची गरज आसता.

३ – १९८० आनी १९९० च्या दशकांमदीं तुळा करतना आतां कोंकणी नेमाळ्यांची संख्या वाडल्या, अशें आसुनूय वेब–सायटी, ई–नेमाळीं प्रगट जायत असात, हें खरेंच बरें लक्षण, वाडिल्ल्या नेमाळ्यांचे संख्ये वांगडा त्यांच प्रमाणान साहित्यिक वाडल्यात हें सांगू नज. बारकायेन पळयल्यार वाचप्यांची संख्याय वाडल्या अशें नेटान सांगोक जायना. *'Content is the Atomic Particle of all digital marketing'* अशें रेबेक्का लीब हिणें बरयलां. असल्या वातावरणांत साहित्यिक प्रसार माध्यम आनी वाचप्याची रूच पळवन साहित्यांत विविधता हाडची गरज आसा. विविधतेच्या नांवान साहित्याचो पावंडो उणो करचो न्हय.


४ – *'Don't push people to where you want to be, meet them where they are'* अशी एक सांगणीं आसा, आयज डिजिटल मिडिया हरेका वाचप्याकडे आसा, पूण हरेक वाचपी शिकपी म्हणूंक जायना आनी हरेक शिकपी वाचता म्हण सागोंक जायना असळे पारिस्थितींत साहित्यीकांनी फाव ते रितीन बरवन वाचप्यांक बांदुन दवरप अत्यंत नाजूक काम जावनआसा.

५ – थोड्या वर्सां आदीं एक साहित्य बरवन प्रगट करप तितलें सुलभ नाशिल्लें/आयज डिजिटल मिडियावरवीं हें काम सुलभ जालां. वेब सायटींचेर कोणय प्रगट करूं येता, असल्या साहित्याचो पावंडो आनी हक्कांचेर *(Copy Right)* गंभीर सवालां असात, पूण साबार रीतीन पळयल्यार आयज संवसारांत सुमार २.८७ बिलियन स्मार्ट फोन आसात असो अंदाज असा, ते आसताना दूसऱ्या सबार डिजिटल मिडियावरवीं साहित्यिक वाचप्या वांगडा उक्तें चिंतप विस्तारित करुन वाचप्यांक साहित्याकडेन आकर्शित करूंक पाविल्ल्यावरी दिसता, अशें केल्ल्यान वेगान बदलपी तंत्रीक, समाजीक, राजकी आनी धर्मीक आचार–विचारांचें सूक्ष्मायेन विशलेषण करुन गुणात्मक *(Qualittative)* साहित्य प्रगट करप शक्य आसा.

६ – नव्या चिंतपाच्या ह्या २१ व्या शतमानांत डिजिटल तांत्रिकता, जागतीकीकरण आनी प्रामुख्यान संसाराच्या दूसऱ्या साहित्याक आनी जीवन शैलेक सुलभपणान पळवची आनी आयकुपाची तांत्रिकता आसताना, फूडल्या दिसांनी आमचे साहित्यिक,खासा करुन संपादक डिजिटल मीडिया आनी तांतल्या तांत्रिकतायेचो प्रयोग कसो करतात हें पळवपासारकें जावन आसा!.



– लारेन्स विनोद बारबोज, मँचेस्टर



## कोंकणिंतलें पयलें डिजिटल साहितीक पत्रिकेची सूर्वात केल्ल्या

# पयणारी पंगडाच्या निरंतरी कोंकणी वावराची अभिमानी

## फुडल्या अंक्यांत

## आशावादी २०–२०

(२०२० दसेंबर २० तारिकेर, २००० इस्वेंत सुरू जाल्ल्या आशावादी प्रकाशनाचो २० वर्सुगेचो सुवाळो कार्यें)

- नव्या कोंकणी बुकांची मोकळीक
- डिजिटल आडियो बूक
- पयणारी–वीज साहितीक स्पर्ध्यांत इनामां जोडल्लीं बर्पी
- आशावादी २० वर्सांची वळोक

# WITH BEST COMPLIMENTS

From

*James Mendonca & Shobha Mendonca*

***Reliable Group of Companies***

**Reliable Fabricators L.L.C.**
P.O.Box: 16648, Dubai, U.A.E.
Tel.: 04 - 333 2399
Fax: 04 - 333 2354
Email: relfab@emirates.net.ae

**Middle East Factory L.L.C.**
P.O.Box: 25401, Dubai, U.A.E.
Tel.: 04 - 338 7767
Fax: 04 - 338 7780
Email: meffab@emirates.net.ae

**Relialbe Metal Construction Industries L.L.C.**
P.O.Box: 35135, Sharjah, U.A.E.
Tel.: 06 - 534 0337
Fax: 06 - 534 0448
Email: relfab@emirates.net.ae

**SAM Electromechanical L.L.C**
P.O.Box: 124940, Dubai, U.A.E.
Tel.: 04 - 320 5345
Fax: 04 - 320 5346
Email: samllc@emirates.net.ae